

ऑगष्ट १९८५

कुळागर

ऑगस्ट १९८५

वर्स : सातवें
अंक : ८

ह्या अंकाचे मोल : ३ रुपया
वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :
प्रकाश थळी
नारायण वादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :
अनिल पै

छापणावळ :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,
बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन,
पो. बॉ. नं. ७८
मडगांव-गोंय-४०३६०१

मांडावळ

कोंकणी चळवळीचो बावटो नव्या नेतृत्वाच्या खांदार

गोंय, दमण आनी दीव संघप्रदेशाची राजभास कोंकणी जावची अशी मागणी करून कोंकणी भक्तांनी जुलय म्हयन्याचे २९ तारखेक पणजे विधानसभेचेर एक मोर्चो व्हेलो. मोर्चो व्हरपाक अेक कारण जालें तें अशें कि कोंकणी भक्तांचें हे मागणेक वाचा फोडपी अेक बिनसरकारी थाराव विरोधी पक्षाच्या अेका आमदारान मांडपाचो येत्न केलो तेन्ना सत्ताधारी काँग्रेस (आय) पक्षाच्या वांगडयांनी विरोध केल्ल्यान तो मांडपाक सभाघराची परवानगी मेळ्ळी ना. मुख्यमंत्र्यांनी त्या वेळार सांगलें कि कोंकणीक घटनेचे आठवे वळेरेंत सुवात दिवन गोंयांत तिका राज-भाशेचो दर्जो दिवंक आपल्या पक्षान लोकाक उतर दिलां; सरकारान न्हय. सरकार योग्य वेळार कोंकणीक ती सुवात दिवपाखातीर वावुरतलो.

मोर्चो सगळया अर्थांनी फळादीक जालो. मोर्चा-वेळार सगळयांनी शांतताय राखली आनी मोर्चा उप्रांत मुख्यमंत्र्यांनी विधानसभेत जाहीर केलें कि काँग्रेस (आय) पक्षान दिल्लें उतर आपल्या सरकाराचेर बंधनकारक आसतलें आनी कोंकणीक राजभास करपाखातीर सरकार वावुरतलो.

आमचे नदरेन कोंकणी चळवळीच्या नेतृत्वात जो बदल घडूंक लागला ताजें दर्शन या मोर्च्यांतल्यान घडलें. कोंकणी चळवळीचे साबार टप्पे आसात. आयज कोंकणीची चळवळ हो मूठभर लोकांची उरूंक ना जाल्यार ती भौसाची चळवळ जावन बसल्या. लोकशाहीच्या युगांत आमचें म्हणणें न्यायाचें आसलें आनी आमची मागणी समाज-कारण, राजकारण, अर्थकारण आनी भाश[...] नदरेन कसाक उतरता आसली तरी ते मागणे[...] लोकांचे बळ नासत जाल्यार राज्य करपी लोक[...] रांत घेनात. आजवेर कोंकणी चळवळीच्या [...] बुध्दीवादाचो आदार घेवन कोंकणीचेर कसो अन्[...] हें संवसाराक दाखोवन दिलें, ते भाशेचो इति[...] ती भास उलोवपी समाजाचें समृद्ध दायज ता[...] मुखार दवल्ले. कोंकणीची साहित्यिक तांक ताणीं [...] पांवडयाचें साहित्य निर्मून सिद्ध केली आनी [...] लाचेर कोंकणीफुडले प्रस्न सोंपतले म्हणून ते[...] रावले. चळवळीच्या लांब काळांत कोंकणी [...] वांटचाक वाट पळेत बसपाचे प्रसंग खूब आय[...] खेपेक ते बसतले आसले.

पुण–

पुण भौसाक जाग आयल्या. गोंयकारपण[...] मानान जगतलो जाल्यार कोंकणीक तिच्या हका[...] आदी मेळोवन दिवंक जाय, हें ताका पटली आ[...] भौसातल्यान फुडे आयिल्ले नवें नेतृत्व वाट पळो[...] ना. आजवेर खूब वाट पळेला. वाट पळोवपांत युग[...] आतां ते आपली मागणी पदरांत घेवपाखातीर ल[...] मान्य असो लोकशक्त संघटीत करपाचो मार्ग [...] लागल्यात.

कोंकणीची चळवळ अेका नव्या वळणा[...] पावल्या, पोरने नेतृत्वान तिचीं सूत्रां आपखोश[...] नेतृत्वाकडेन दिल्यांत.

तरांचो संसार - ३ (अेक दिसपट्टी)

— पाडुरंग भांगी

,-८-७३. कलावंत होय मनिसच आसता. देखून, ळो ताका केन्नाच रावूंक मेळना. ज्या समाजांतल्यान या समाजांत ताका वावुरचें पडटा. त्या समाजांतच वंचें पडटा. ताका जाय जांव वा नाका जांव, त्या बदल वा परिवर्तन घडून येता, त्या परिवर्तनाचो वा ाय ताका जांवचोच पडटा. त्या परिवर्तनाचे साद ताजे कलेंत घडये आसुयेत, घडये नासुयेत. ते आसचेच ाणें प्रामाणिक आसूंक जाय आपले कलेकडेन. ताणें ासूंक जाय खासा आपल्याकडेन, आपल्या मनाकडेन, ठजाकडेन.

-८-७३. सुखाचो भाग दिवचो. दुःख मात आपणें ोंसचें. सुखाचो भाग दिल्यार सुखाचो आनंद शतपटीन ाचो भाग दिल्यार दुखाचो फार्स जाता.

-९-७३. फिशाल मेस्तय कलावंतच आसता. कवींनी, त्रिकांनी आनी हेर कलावंतानी ताका आपल्या परस लेखूंक फावना. कलावंत केदेय व्हड जाले, तरी कले-रांतल्या खंयच्याच देशांत बंडां जावंक नात. खंयचोच न अुठूंक ना.

ातात पोटाखातीर. बंडां जातात सत्तेखातीर. जाल्या- जिणेक अुबारी दिल्या ती कलेनच. मनशाक मनिसपण लेनच. मनशाचे नातें देवाकडेन जोडलां तेंय कलेनच.

-९-७६. पंडितान म्हाका सामको भौमानाच्या शिख- बसयला. येदो मान म्हाका फावना. तेदे योग्यतायेचो

साहित्याची भास घडोवपाचो हांवें यत्न केला. थोडें जोडलां. जें कितें हावें बरयलां तें पोटतिडकेन बर-कांयच फट ना. जी भास हांव बरयतां तिका अेक संगिताचो साज आसा. खासा तिजी अशी अेक लय ाल आसा. हाजो अभिमान म्हाका जरूर आसा.

ोंयबाबाफाटल्यान कोंकणीचो म्ह लगडो कसो पंडितान . तांच्या म्हऱ्यांत व्हरून म्हाका बसयला. गोंयबाबांची सर कशी जायत ? गोंयबाब हे कोंकणीचे मूळपुरूस. कोंकणीचे भिष्माचार्य. कोंकणीचे शणै. हांव कितलोय जाल्यार कोंकणीच्या मळार वात्र करशी अेक नम्र मानाय.

आज कोंकणीक केळोवपी जायते जाण आसात. हांव अेकलोच न्हय. रुप्याच्यो फुलयो मारिल्ल्या आनी किरां–म्होरांची कंगरखीस केल्या पाटार बसचेलो मान पंडिताक म्हजेपरसय चड फावता. कोंकणीच्या आंगाखांदार वज्र केंपांचे अळंकार ताणें घाल्यात. म्हज्या परसय कोंकणीची सेवा ताणें चड केल्या. वेल्याच राक न्हंय, तर मनापासून हांव सांगतां कि, कवी आनी कलावंत ह्या नात्यान पंडिताची योग्यता म्हज्यापरसय व्हड आसा.

२-१०-७३. ह्या देशांत आज गांधीक मान अुरूंक ना. म्हात्मो आज जितो आशिल्लो जाल्यार, आपल्याच सरकारा आड बंडाचो अुलो घालचो पडटलो आशिल्लो. चांटचा पावलाक ताच्यो बकच्छायो जातल्यो आशिल्ल्यो. ताचे अिप्रतिस्ठेक पारावार आसचो नाशिल्लो.

ज्या देशांत सरळ मार्गान वतल्यांची गोमटी वता, आनी वांकडचा मार्गान वतल्यांक धोंद फुट्टा; ज्या देशांत सत्ताधिश मधान्त जातात. आनी देशाच्या हितापरस आपल्याच स्वार्थाक आनी सुखाक संवकतात; ज्या देशांत सत्त्याच्या नांवाचेर असत्त्यच मातृता; ज्या देशांत अुजवाडाक दारां धांपून घालतात, आनी काळखाचीच अुजवाड म्हणून पूजा करतात, ज्या देशांत प्रामाणिक, सरळ, सात्विक आनी भावार्थी मनशांक खोंटांनी गुड्डायतात आनी चोर, जुगाड्डे, शिंदळ आनी खुनमाऱ्यांक माथ्यार घेवन नाचतात; ज्या देशांत मनशांक मनिसपणान जियोवंक मेळना आनी न्यायाची शाश्वती ना, त्या देशांत, गांधीचो भार कोणाचेरय आयल्याबगर, गांधी केन्नाच जितो अुरना. गांधीची सासाय पासून थंय आसना.

९-४-७४. म्हा–पुरसांचे निर्वाण, एका अर्थान नव्या युगाची नांदी जाता. देखुनच वामनबाबाची मर्णतीथ जागवप म्हळचार, गोंयचे अस्मितायेक जागृती हाडप.

कोंकणीच्या स्वराज्याचो दिस्टावो वामनबाबाकच जालो. सामके निर्णल्ल्या, अबर्गत जाल्ल्या गोंयकारांत नवो प्राण फुंकपाचों यत्न वामनबाबांनीच केलो. आपलेपणाच्या अभिमानान दर गोंयकार पर्मळचो आनी धनीपणाचे अुबेन पुरुशार्थाक चडचो, ह्या खातीर

वामनबाबांनीच आपलो जीव खडपसूक केलो. अख्ख्यें ब्रह्मांड-भर कोंकणी संस्कृतायेंची घुडी अुबारपाची शिकोवण, आमगेल्या माणकुल्या भुरग्यांक ताणींच दिली; आनी भुरग्यांच्या काळजांत, सगळ्या ब्रह्मांडाचो कोंकण करपाचो हावेस ताणींच रुजोवपाचो यत्न केलो.

हिंदुस्थानचे स्वतंत्रतायेचें सपन ताच्या दोळ्यामुखार जेन्ना घसघशीत अुबें जालें, तेन्ना ते स्वतंत्रतायेक वेंग मारून भाग्यवंत जायात, अशें पराथून गोंयबाबांनीच आमकां सांगलें आनी विचाल्लें : 'तुमी स्वराज्य जोडटकीर करतले ते कितें? आपलो कारभार खासा आपल्या हातांत घेवन, गोंयचें राज्य तुमचे तुमींच कोंकणींतल्यान चलयतले, काय गोंय मराठणाक वा कर्णाटकाक दसोवन सासणाचे बंदे जावन रावतले?'

तुर्ताक आमचो कारभार आमी चलयतात. हें जाणा जावनय हांव म्हण्टां : हाची जाप दर अेकल्या गोंयकारान आजुनय दिवपा-चीच आसा.

२०–५–७४. संवसारांतलो खंयचोच लोक आपले भाशेक केन्नाच कुंडचापास्ट करिना. आपले भाशेक कडेन दवरून परकेक केन्ना पोटलून धरिना. आमी मात, आमचेच भाशेक चांट्या–पावलाक कुस्कुटायतात. दिसपट्टी तिका धेडी कशी लेखतात. हेंगाडी म्हणून हिणयतात. असो उंवाळून घाल्लो लोक, गोंय सोडून, दुसरेकडेन खंयच मेळपार ना.

जाय तशी बदलपाक भास केन्ना भेस जायना. आनी परकी भास कितलीय लागीं केली, तरी मायें–मोगाच्या कळवळचाची कान्त तिका केन्नाच मारिना.

आपलीच भास आपणें सोडप म्हळ्यार, आपल्याकच आपणें आद्यस्तनां नाशिल्लो करप. आपलोच आत्मो आपणेंच घाण दवरप. आपल्याकच आपणें भाडचाक घालप. आपल्याकच आपणें पावणेर काडप.

१४–२–७५. संतांची परंपरा सांगीत, मराठी-कोंकणीचेर 'मुलुखगिरी' गाजोवंक सोदता. कोंकणीक गिळूंक पळेता. आपल्या बडवचारांचो तोरो मिरयत कोंकणीक हिणयता. असलें पाडें राजकर्ण, ज्ञानेश्वराचे आनी तुकारामाचे मराठीक सोबना. आनी मराठीन कितलेय हात–पांय थोडायले, तरी कोंक-णीक गिळूंक तिका कालत्रयीं जमचें ना.

मनशा मनशांत जसो भेद करूंक फावना, तसोच भासा-भासांतय भेद करूंक फावना. खंचीच भास दुसरे भाशेपरस व्हड नासता, तशीच दुसरे परस ल्हानय नासता. अेके भाशेपरस दुसरी भास वेगळी आसता, अितलेंच आमच्यांनीं म्हणू येता.

भास म्हळ्यार मनिस. मनिस म्हळ्यार भास. भाशेक मारप म्हळ्यार मनशाक मारप भाशेक मारप. म्हळ्यार मनशाची हत्या करप.

मनिसपण आशिल्लो मनिस मनशाची केन्न
केली जाल्यार ताजी गणना मनशांत जायना.

२६–२–७५. आज कोंकणी साहित्य अ
देशांतल्या भासांचे वळेरेंत आपल्या हक्काच्या पा
गोंयबाबांच्या तपाक फळ आयलें. आमच्या वावरचें

संवसारांतले खंचेच भाशेक अशे हाल–उपाद्रे
अशे वळवळे सोंसचे पडू नात. गोंयांत, कोंकणीच्या
तिका वनवास भोगचो पडलो. तिका केंडून केंडू
उडयली. बोंदरां–फाळ्यांनी तिका आपली लज
आपल्या हक्का खातीर तिका दिस–रात झुजचें पड

कोंकणीच आमकां हुस्क्यामेकळी अुलोवंक दि
आमचें आत्मपण आकाराक हाड्टली. कोंकणीच
आमच्या भुरग्या–बाळांचें कर्तुत्व फांकयतली. कोंकणी
पासांनी आमकां जोड्टली. कोंकणी हो आमचो अ
हो आमचो प्राण. आज, आमचे जुवान भुरगे खोशेन
अुमाळ्यांक औरां आयलीं. आज आमचें मथें सह्य
जालें. आमच्या काळजाक गोमन्त समुद्राची खोलाय

जाल्यारुय, अितल्यान आमी संतुस्ट
आयच्यान आमचेर अेक जापसालदारकी आयली.
भाटां आतां पाडंग पडूंक फावनात. सडे पासून जि
आमी फुलोवंक जाय. आमचीं झाडां-पेडां चंवरलेलीं
फुलां-फळांनी भरूंक जाय. ह्या ख तीर, नांगराच्या ज
आमची भूंय आमकां कसची पड्टली. जिणेचे नवे न
पड्टले. रगत आटोवचें पड्टलें. हुमेचे दोंडिनी
पड्टली. आतां धर्मच्यावेलो हात कसोच धील
आळसायेक आतां जागो ना.

२८–३–७५. कोंकणीक साहित्य अकादे
दीत पासून, महाराष्ट्रांतले कांय संपादपी आनी
चाळ्यांत पडल्यात. तांकां कितें करचें तेंच सुचना
काराक हळडुवें तशें कोंकणीत तांकां राजकर्ण दि
कंसाक जसो न्हिदेंत आनी जागृतांत, अुठता, बसतां
तशी तांकां कोंकणी दिसपाक लागल्या. दुस्वासाचो
आयला. खोरजता अेके कडेन आनी ते खरपितात
तांची अवस्ता जाल्या.

पैल्याच फाराक सांगप म्हळ्यार, कोंकणी ही
केन्नाच नाशिल्ली. आजय ना. फुडाराकय जावपाची

कोंकण ही पुर्विल्ली पुरातन भूंय. महाराष्ट्र हें
येंवच्या पैलीं, कोंकण हें अुतर जन्माक आयलां.
भिष्मपर्वाच्या ९ व्या अध्यायांत गोयांचें आनी
आसा. अशे पुर्विल्ले पुरातन भुंयेची भास आविल्ली

कांय अितिहासीक कारणाक लागून मराठी
देवगिरीच्या यादवांचो काळ हो ज्ञानेश्वराचो अु

यादवांकडेन आशिल्लें आनी तांच्या दरबारांतली भास ल्ली.

त बरयल्ल्या 'कोंकण महात्म्यां' त म्हात्मेकार कानडी लिहिणे कोंकण बोली ।। येथ हेमाडपंती ।। विजापुरीं म्लेच्छ राजसत्ता झाली ।। तेव्हां ाली काबिजादी ।। ५ ।। कोंकणास ठाणे बैसली ।। हिंदवी प्रगटली ।। मग महाराष्ट्र ब्राह्मणीं आणली ।। तांची ।। ६ ।। तेथोनी कोंकणासी महाराष्ट्र ग्रंथ ।। दी पर्व भारत ।। आणि कृष्णदास मुग्दुली कृत ।। ायणासी ।। ७ ।। ' हाचेवेल्यान सणसणीत सिद्ध जाता ो गोंयची वा कोंकणाची भास न्हंय. ती हांगा आमी — अतिहासीक कारणाक लागून हाडली. अितिहासीक ागुनच राखली. ती आमची निजाची भास न्हंय. ती ची.

ही जर आमची निजाची भास आशिल्ली, तर वेळार जे गोंयकार गोंयांसकल देंवले, केरळ धरून पावले, तांची ती कित्याक जालिना ? ताणीं कोंकणी ली ना आनी मराठी कित्याक राखलिना ? तांका ले ? मराठी ही आमची निजाची भास आशिल्ली भास ते कशेंच सोडचे नाशिल्ले. ती भास ते राखतले डचें येता तेंच वता. निजाचें आसता तेंच अुरता.

च्या शेंकडयांत, अीस्ट अिंडिया कंपनिची तिजोरी, िवान वळखताले, त्या राम कामतीक अिंग्लेजांचे ळवळून जीव सोडचो पडलो. ज्याणें मराठणाक कैली, त्या रामचंद्रबाबा मल्हाराच्या हाताक अेका पडल्यो. पानिपतच्या झुजा मळार अहमदशा राठणाच्या गळयांतलें मंगळसूत्र तोडून, हातांतलीं न अुडयलीं, अनी धड आयाव न्हय आनी धड अशी जे भुंयेची अवस्ता करून अुडयली, ते भुंयेच्या च्या ज्या पराक्रमी पुतान, जिवबादादा केरकारान, दिच्या बळग्यान सौभाग्याची गळसरी परतून बांदली, अवस्ता बावक्या फुलावरी जाली. खासा ताज्याच यण बक्षीचो मराठणान 'पक्षी' केलो, ज्याणें आयुश्यभर खो घेवन आपलो जीव सर्गदन केलो, त्या भौ. अ. का. 'तुमकां अेक सांगूं ? म्हाका कारवारच्या साहित्य जमानपण मेळलें, तें त्या काळावेली गरज म्हणून. ाराष्ट्रांत येवचें म्हणून हांवें गडगंज आधार दिल्लो. ष्ट्रवाल्यांचो तातूंत आदाव आशिल्लो. देखून तांच्या ताणीं म्हाका भोमानाचो पाट दिलो. भाशेच्या प्रस्न नाशिल्लो जाल्यार संमेलनाचे यजमानपण म्हाका नाशिल्लें.' ● अशे निर्शेणेचे अुद्गार काडलें ह्या ावंक फावना. आमकां धनीपणाची अुब मेळूंक जाय.

स्वराज्यांत धनीपणाच्या धेंकान आमी वावरूंक जाय. आमची अस्मिताय फुलून येवंक जाय. आमचें कर्तृत्व फोपेवंक जाय. देखून आमकां कोंकणी जाय.

परके भाशेन, ती मागीर आमकां कितलीय लागशिली आसूं, आमचो गळो अंदता. आमच्या भावनांच्या अुमाळयांक अुतरांचो पडसर जाय तसो मेळना. आमकां जें सांगूंक जाय तें आमी सांगूंक पावनात. सरकारी दिवाणांत, कोर्ट—कचेरींत आमकां सडसडीत हुस्क्या—मेकळें अुलोवंक मेळूंक जाय. अुतरां गळगळीत सुटूंक जाय. तीं आडखळूंक फावनात. देखून आमकां कोंकणी जाय.

कोंकणी अुलोवपी लोक जळामळाक शिंपडला. तो आतां अेकठांय जावपाक जाय. अेकचाराच्या पासान लागीं येवपाक जाय. हें अितिहासीक कार्य कोंकणीच्या वांटचाक आतां आयलां. देखून आमकां कोंकणी जाय.


भासच मनशाक आत्मपण दिता. आपले सारकायेन घड्टा. सृजनाचें काम आपले भाशेनच तरतरून फुलता. देखून आमकां कोंकणी जाय.

कोंकणीचे व्हडविकेंत आमची व्हडवीक आसा. कोंकणीचे अस्मितायेंत आमची अस्मिताय आसा. हातूंत कसलेंच राजकर्ण ना. कोणाकय तशें दिसलें जाल्यार ताका आमचो अुपाय ना.

कोंकणीचें वेगळें राज्य घडून येत म्हणून तांकां भय दिसता. देखून, तांकां जाळ पडल्यात. ते झुजाची भास अुलैतात.

फुडाराक कितें घडये, हें आजच आमच्यांनी सांगूं नज. आमच्यात प्रज्ञा आसा. आमच्यांत अुब्री आसा. कोंकणीचें वेगळें राज्य घडये जावये. फाल्यांचो निर्वाळो कोण दीत ? आज अितलेंच म्हणूं येता : कितलींय आडवणां घालीं म्हणून अितिहास घडचेलो रावचो ना. काळ कोणा खातीर थांबचो ना. सत्तेच्या नाडयार मनशांक चिड्डूंक मेळनात. चेंचल्यारूय तांचो प्राण वचना.

(चलता)



ूस (मराठी सातोळे) —अंक १९—५—७३—पा. ३८

गजाली

१. सिद्धिविनायक आनी अमिताभ बच्चन

२. कुमार गंधर्व

३. 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या...'

४. नांवांची मौज

— अना म्हांबरो

मुंबयच्या लोकाक देव लागना, पुण देवसपण खूब लागता.

आमी रावतांत थंय लागींलागसार अेक गणपतीचें देवूळ आसा. ह्या गणपतीक लोक 'सिद्धिविनायक' म्हूण वळखतात. आनीक कांय अंतराचेर– शिवाजी पार्काचेर– दुसरें अेक गणपतीचें देवूळ आसा. ताका आदल्या काळार 'मैदान–गणपती' म्हूण वळखतालें. आतां लोक ताका 'अुद्यान–गणपती' म्हणटात. (मैदान-गणपती म्हळ्यार तो आखाड्यांतलो कुस्तीगीर कसो दिसतलो म्हूण लोकांनी हो बदल केला जावंये.)

तर सांगपाची गजाल म्हळ्यार सिद्धिविनायक हो अेक मुंबयं-तलो फामाद देव. ताका देवांतलो अमिताभ बच्चन म्हूण येता. म्हळ्यार अमिताभ बच्चनाक पळोवंक, ताची भेट घेवंक लोकांची जशी गर्दी जाता तशी ह्या सिद्धिविनायकाकूय जाता.

नायजाल्यार मुंबयंत देवांची पॉप्युलेरिटी सादारण नट–नटयांच्या पॉप्युलेरिटीवरीच आसता. हिंदी सिनेमांत अेका काळार राजेश खन्ना, धर्मेन्द्र बी फामाद आसले तसो हांगा आदल्या काळार पिकेट रोडावेलो मारुती प्रसिद्ध आसलो. जो तो मनीस अुट्टालो आनी ताचे भेटेक वेतालो. सध्या अशी प्रसिद्धी सिद्धिविनायकाक मेळटा.

मंगळार हो सिद्धिविनायकाचो दीस. ते दीस भेटेक भक्तांच्यो व्हडल्यो लायनी लागिल्ल्यो आसतात. ह्या लायनींची लांबाय खूब वाडटा. तातूंत आनी संकष्टी दीस येत जाल्यार कांय विचारू नाका. तो दीस म्हळ्यार व्हडा भाग्याचो, अशें म्हूणून हजारांनी लोक सिद्धिविनायकाचें दर्शन घेतात.

लोकांची ही जी लूट ते दीस जाता ताचें वर्णन कितें लोक आदले रातचे येवन देवळामुखार न्हिदतात. दुसरे दी रातीमेरेन लोकांची रीघ चालूच आसता. रातचीं बारा येतात तेन्ना लोकांची झुंबड वाडटा. दीस बदलचेपय दर्शन घेवंक जाय म्हूणून लोक जो गडबडगोंधळ करतात पुलिसांक लाठीमार बी करचो पडटा. त्यावेळार कांय बी पडटात. हेर लोक आडुयोहुयेली मारतात.

फाटीं अेका मुंबयकारान हांगाच्या नेमाळ्यांत बरयल्लो .. आपूण खंयतरी पैस... बोरीवली बी रावत नोकरी करता. दर मंगळारा ऑफीस सुटकूच लोकल (ट्रे दादर देंवतां, चलत वचून सिद्धिविनायकाचें दर्शन घे क्यूंत अुबो रावतां... दोन–तीन वरांनी देवाची भेट अुपरांत दादर वचून लोकल धरून घरा पावता म्हण ११–१२ वरां जातात. फाटली धा वर्सां आपूण हें नेम आयलां. कित्याक तें मात् आपणाक विचारूं नाकात. सांगूंक येवचें ना.

अेका काळार लोक सिद्धिविनायकाचे व्हडपण आतां ते ताची भेट घेवंक लोकांची जी गर्दी जाता ति सांगतात.

अमिताभ बच्चन दुयेंत आसलो तेन्ना सिद्धि नामना अदीक वाडली. कारण अमिताभाची घरकान्न–ज आंगवण्यो करूंक अदींमदीं त्या देवळांत वेताली. आ आयल्या म्हूण समजतकूच लोक थंय गर्दी करत नाकाशेवट करून सोडटाले.

अुपरांत अमिताभ बरो जालो. तो हॉस्पिटलांत आयलो. त्याबराबर भक्तांनी रस्त्यार अेक व्हडलो बॅन God is great Amitabh is back (देव अभिताभ परथो आयलो.)

कांय तेंपान सकाळी ६ वरांचेर अमिताभ आनी सिद्धिविनायकाचे भेटेक आयलीं तेदीस देवळाच्या जा खुबशे पुलीस दवरचे पडले– लोकांक आडावपाखातीर.

तेदीस वरभर सिद्धिविनायकाच्या हेर भक्तांक आमले.

कुमार गंधर्व

मे म्हयन्याच्या दुसऱ्या–तिसऱ्या सप्तकांत हा गंधर्वांचीं संगीताचेर ६ व्याख्यानां जालीं. कुमारांच्या रसीक ह्या व्याख्यानांक व्हड प्रमाणांत हजर आसले. ह

आयकुप्यांक संगीताकडेन पळोवपाची अेक नवी नदर
ोककरून, संगीताच्या वेगवेगळ्या घराण्यांविशीं, आदल्या
र्व कुमार ज्यो यादी सांगताले त्यो आयकुपासारक्यो
दींमदीं त्या गायकांच्यो गावपाच्यो लकबीय ते दाखयताले.
यनांतल्यान तांणी अब्दुल करीम खां, फैय्याज खां, बाल-
लोकांमुखार अुबे केले.

र गंधर्वांची साठी पोरू जाली. ते अेक prodigy.
२ व्या वर्सा मुंबयच्या जिना हॉलात तांणी पयलें गायन
ाच्या मळार तांणी खूब प्रयोग केल्यात. आयकुप्यांक खूब
तेंतरी दिलां.

रचिल्ल्या रागांचें आनी बंदिशींचें 'अनूपरागविलास'
ुस्तक आसा. आतांमेरेन तांणी ऋतुगीतां ('घन गरजन
चक्र, गीत हेमंत, गीत वसंत, ऋतुराज महफील),
लेले ब लगंधर्व, तांबे गीत रजनी, तुकाराम-अेक दर्शन,
अेक दर्शन, ठुमरी- टप्पा- तराणा, त्रिवेणी (कबीर,
रा हांच्या पदांची कार्यावळ . मालवा की लोकधुनें, राग
दर्शन... अशेतरेचे कार्यक्रम केल्यात.

र गंधर्वांचेर आतांमेरेन खुबशा जाणांनी लेख बरयल्यात.
व्याख्यानांच्या कार्यावळीच्या वेळार अुजवाडायिल्ले
अिंदिरा संत हे कवयित्रीचो अेक लेख आयला तो
े तरेचो आसा. ह्या लेखांत त्यो म्हण्टात : 'कुमारजींच्या
जथें विजेसारखी धार आहे, तिथे तिला आकाशाची
त्या ताना स्तिमित करतात आणि त्यावेळचे हातांचे
श्राणते. जिथे त्यांचा आवाज कोमल आहे तिथे त्याला
ीच्या नाजूक तणावांची झालर आहे. आणि त्यावेळच्या
र्तनाला जललहरींचे मार्दव आहे. कुमारांचे गाणे म्हणजे
व्दपण' कसे असते ते सांगणारे आहे.'

त अिंदिरा संत कुमारांच्या अेका भजनाविशीं गजाल
(ते) कबीराच्या भजनाबद्दल बोलत होते. त्याच्या
ची त्यांना ओढ होती. 'नैया मोरी निके निके चालन
चे भावसौंदर्य ते स्वरलयीच्या सौंदर्यातून कसे अुलगडते
ांगणार होते. 'माझं आयुष्य ही नाव, मी आत. खेवट
वणारा. वादळ वारे आले, (नाव) अुलथली, डोक्या-
रखे ओझे झाले. मला त्याचे काही नाही. तो वल्हवणारा
वेतो. मी या नावेत कसा डुलत डुलत सुखात जातो
म्हणत त्यांनी शेजारची अेक वही घेअून तिच्यावर
'नैया मोरी-' या स्वराने मी दचकलेच. 'माझी नाव'
त्या स्वरांतून, त्या हातातून आणि त्या नजरेच्या
सळली- आणि मग लगेच स्वर कोमल झाला, तानांच्या
झाल्या. लयीला मार्दव आले आणि दोन्ही हातांची
टून त्यांच्या नर्तनातून, स्वरांतून, मानेच्या हेलकाव्या-
ाले ते संथ वाहणाऱ्या नदीमध्ये डुचमळत ठूमकत
ावेचे चित्र.

मेघा' ला आवाज आकाशात भरून आला. त्याला
अनुसरून ते हातवारे... शब्दांना अर्थ देणाऱ्या ताना...पुन्हा कोमल स्वरांत नावेचे लाडिक हिनकळणे. 'था बहुदिनकी अकथ कथी है, बिरले खेवट जाने' येथपर्यंत गाणे आले, नाव हिनकळू लागली... तेव्हापासून 'निक्कीनिक्की' मनात सारखे घोळते आहे...'

'पणजी आतां म्हातारी जाल्या...' च्या निमतान

हो म्हगेले कथासंग्रह वाचून अेका वाचप्यान प्रस्न केलो, हांकां कसल्यो कथा म्हणटात? ताका हांवें म्हळें, हातूंत कांय निव्वळ विनोदी, कांय विक्षिप्त, कांय अ-कथा, अेकाददुसरी फॅण्टसी अशे तरेच्यो कथा आसात. ह्या कथांनी अदींमदीं अुपरोध, विडंबन बी आयलां. पुण ह्या संग्रहांत अुपहास कथा ना. ,

चडशो कथा गोंयचे जिणेचेर आशिल्ल्यान तातूंत हांगाचे मंत्री फुडारी, साहित्यिक बी आयल्यात. जांचीं नांवां ह्या कथांनी आयल्यांत तांचीं फकाणां मारपाचो हातूंत हेत ना. (हांतल्या खुबशा मनशांविशीं म्हाका आदर आसा.)

आशय आनी अभिव्यक्ती हांचे नदरेन वेगळें कितें करूं येता हाचेर येवजितां येवजितां ह्या संग्रहांतल्यो चडशो कथा निर्माण जाल्यात. दुसऱ्या अुतरांनी सांगपाचें जाल्यार ह्या कथांनी कांय वेगळे तरेचे विशय हाताळपाचो आनी ते वेगळ्या फॉर्मांत मांडपाचो येत्न केला. देखीक, हांतली 'अेक झगडें: दोगांचें' ही कथा मनशां-मनशां मदलो कम्युनिकेशनचो प्रस्न हाताळटा. अेक मनीस अुलयता तें दुसऱ्याक समजलें ना जाल्यार कितें जावं येता तें सांगपाचो हें कथेंत येत्न केला.

हांवें म्हज्या कथांविशीं बरें कितें सांगलें म्हुण तें वाचप्यांक पटूंक नाका? स्वयंचेंय साहित्य वाचताना वाचप्याक जो आनंद मेळटा तो ह्या कथांनी मेळ्ळो जाल्यार खूब जालें.

नांवांची मौज

लक्ष्मणराव सरदेसाय अेका लेखांत ('पुर्विल्लीं नांवां') आपल्या जाणटेल्यांच्या नांवांची खबर सांगताना म्हणटात : 'म्हज्या बापायक 'शेड्डो' म्हणटाले बापोल्याक 'गुटी'. कोणाक 'चिंगो', कोणाक 'पेटो', कोणाक 'दोमळो', कोणाक 'पोको', कोणाक 'झेमो'... म्हगेलो बापूय वयेवेल्या शेड्डयाभशेन शिरपुटो आशिल्लो म्हणून ताका शेड्डो म्हणूंक लागले. आपलें खरेलें नांव 'श्रीपाद' म्हणपाचें बापायकूय खबर नाशिल्लें. 'श्रीपाद' म्हणून कोणेंय अुल्लो माल्लो जाल्यार-बापूय आयकल्या ना आयकल्या भशेन करून फुडें वेतालो. ताका दिसताले हो अुलो आपणाक न्हय, दुसऱ्याक... म्हज्या बापोल्याचें पाळण्यांतलें नांव 'गणपत'. पुण तो गोरो, गुबगुबीत वांटकुळोच आशिल्लो. कापसाच्या गुटल्याभशेन. देखून ताका गुटलो म्हणूंक लागले. मागीर 'गणपत' फाटीं पडलो आनी कांय तेंप 'गुटलो' जालो, आनी गुटल्याचो 'गुटी' जालो. होच गुटीबाब. अेकाचें नांव आशिल्लें 'हरि'. तो आशिल्लो काळो. ताका ताचे पणजेन 'दोमळो' म्हळें. तो फुडें जालो 'दोमळेबाब.'

-▣-

‘ पणजी आतां म्हातारी जाल्या... ’

– ‘ अ-ना-कथे ’ चो सोबीत आविश्कार

‘ कथांची कथा ’ नावान अनान ह्या पुस्तकांक ल्हानशी प्रस्तावना दिल्या. तातूंत लेखक म्हणटा : ‘ वाचप्यांनी ह्या कथांक वेगवेगळे तरेन येवकार दिला. पणजेच्या अेका दोतोरान ‘ एक सरकारी ऑफीस ’ ही कथा आपणाक आवडली ना अशें स्पश्टपणान सांगलें. हाचे अुरफाटें, ‘ जनू, शंकू आनी बुरांटो ’ ही कथा आपणाक खूब मानवली अशें अेका कोंकणी साहित्यिकान म्हळें आनी ‘ विठूली चावी सांडलो ’ ही कथा वाचतकूच आपणाक कसलोसो आनंद ‘ गवसलो ’ अशें अेका मराठी साहित्यिकान बरयलें. त्यामानान संपादक मातशे वेगळे. अेका संपादकान हांतले अेके कथेक ‘ अॅब्सर्ड ’ म्हळें. दुसऱ्यान दुसरेक ‘ खुसखुशीत ’ म्हळें, तिसऱ्यान तिसरेक ‘ अनाकथा ’ म्हणून हांवें अशा कथांचो प्रवाह कोंकणींत सुरू केलो बी म्हळें. ’

हो तिसरो संपादक म्हणजेंच दामोदर मावजो. कोंकणी भाशा मंडळाच्या ‘कोंकणी’ ह्या दिवाळी १९८२ च्या अंकांत ‘ हांव दिल्लीक कित्याक वेतां तें सांगतां ’ हे कथेक ‘ अनाकथा ’ हे लेबल पयलेंच फावट लावन ताणें भाश्य केल्लें. मावजो हांगा ह्या अना-कथांविशीं मात्शें विस्तारान बरयता–

– दामोदर मावजो

पणजेचे जायते रुपकार हांवें पळयल्यात. पुर्तुगेजाचे मुस्तींत ती सुस्त प्रौढा कशी दिसताली. स्वतंत्र जायना फुडें ती सैरभैर जाल्लेवरी दिसुंक लागली. वेंचणुकां उपरांत ती भुरगेपणांतच जाण्टेपण पांगुरिल्लेवरी दिसूंक लागली. ओपिनिअन पोल जायनाफुडे ती अकस्मात भुरगी जाल्लेवरी तिटतिटूंक लागली. हालीं हालीं ती चारपांच भुरगीं जावनूय जुवान आशिल्ली, संवसाराक विटिल्ली, बंद ब्लॉकांत रावपी अस्तरेवरी ‘ तुमी जाय तें करात, म्हाका तुमचें कांयच पडूंक ना ’ अशें म्हणून पयस पार दोळे लावन स्थितप्रज्ञाभाशेन बसल्याशी दिसता. पुण पयर ‘ पणजी आतां म्हातारी जाल्या ’ हे पुस्तक वाचलें आनी काल पणजे पावलों जाल्यार कितें सांगूं ?– खरेंच, पणजी आतां म्हातारी जाल्या ...

फाटलीं वीस बरसां सातत्यान बरोवपी अना म्हांबरो हो अेक प्रतिभावंत लेखक. तांगेली लिखणी वावुडपाची तरा साप सामान्याभायली.

अनाले कथेक कथानक मानवना. अेक इलीशी घडणूक अेके सामान्य गजालीचो तंतू दाबणांत गुंतून तो ओडून ओडून वस्त्र विणपाचें अनाचें कसब तोखेवपासारकें. खंयच हो तंतू खंयच तो घुसपना.

अनाली कथा ही कथाच न्हय अशें मानपी वाचपी [illegible] मदीं आसात. अनाल्या बरपांतलें लालित्य ते मानून घेतात. घेवपासारकें खूब आसता हें तांकां मान्य आसा. अनालें बरप[illegible] रांक खावड घालता अशें तेच सांगतात. ताणी अनाली क[illegible] कथा न्ही ’ अशें धरूनच वाचची. ताका कोणाचो आक्षेप ना.

कथा कशी आसची हाजेसंबंदान कोणे कोणाक सां[illegible] कथेच्यो मेधामर्यादा आज खूब विस्तारल्यात. व्यक्तिचित्रां, श[illegible] हांकां वेंगावन कथा खूब फुडें गेल्या. तातुंतूच अनाले कथेच्या विस्ताराक अेक नवें परिमाण दिलां अशें म्हणूंक जा[illegible]

‘ विठूली चावी सांडली ’ ही अेक अशीच सामान्य [illegible] आदारून विस्तारिल्ली कथा. ही कथा कशी तयार जा[illegible] कथेंतल्याच उत्तरांनी मेळटा :

कुळ[illegible]

…वी शेणली ही अेक घडणूक म्हळचार घटणा जाली. …टणेक ती घडपाखातीर कारण लागता. त्या शिवाय ती … घटणेक अेकच कारण आसूंक जाय म्हणून ना. अेकापरस …ां आसू येतात.'

…सांगतां सांगतां समाजांतल्या धोंगांपोंगांचेर अना अचूक …. चावी शेणिल्लो विटू देवा–जोतिसाचो आदार कसो …फटवता तें ताणे हांस हांसत सांगलां. फुडें चावी शेणल्या …न पुलीस दारार येता तेन्ना 'हो रामराज्यांतलो पुलीस …पावलो काय' असो विठूक प्रस्न पडटा. मुखार पुलीस … चावी शेणली जाल्यार ती सोदपाचें काम आमचें न्हय. …ल्या जाल्यार त्या चोराक सोदपाचें काम आमचें.' हे …ंतले ब्युरोक्रेसीचेर आनी नाकर्तेपणाचेरूय लेखकान बोट

…जी आतां म्हातारी जाल्या' हे कथेंतल्यान अनान …ताये बराबरच तिजे विकृतायेचेरूय नदर मारल्या. … गुण–दोश उक्तेपणान सांगल्यात. अेका तिरसुवाद … नदरेंतल्यान रंगयिल्लें हें पणजेचें चित्र वाचप्यांक …नी येवजुंकूय लायता.

…अेक लांबायरूंदाय बरी आसा. पुण पणजेकारांची मनां …र.' हीं मनां अशीर किल्याक म्हणपाचीं तें अनाक …तुमी सोडून काडचें वा पणजेकारांनीं अंतर्मुख जावन … बरोवप्याची तटस्थ भूमिका.

…ांत मान खरो तिगांक :– मंत्र्यांक, मंत्र्यांच्या पारेंतांक …या वळखिच्यांक (हातूंक शेजारी आयले.) अुपरांत …धिकाऱ्यांक. मंत्र्यांक जावं सरकारी अधिकाऱ्यांक जो …णजेंत सांडलोच.' अशें अना सहज बरोवन वता. पुण …ान्य मनशांची वेथा ह्या अुतरांतल्यान हुसकारिल्ली … पडटा.

…नोद, रस्मी चिमटे आनी सुवादीक तिरसुवादपणां …ची खंयचीय कथा वाचताना बरोवप्याक समाजाकडेन …गणूक अुतराकणकणी जाणवता. 'सगले बाजारांत … हाडूंक म्हणून वेतात. भितल्ले अर्दे तें म्हारग म्हण …थे येतात.' ह्या अर्द लोकांमदीं वाचप्याक आपुणूय … आनी देखुनच अनाली कथा वाचप्याक आपणा- …फुडें वता.

…' कथेचो ओघ हो सामान्याभायलो. म्हैसुरच्या …ांत अुदक वयल्यानसून व्हांवत सोपणावेल्यान उडक्यो … देंवता ते भशेन. सोपणासोपणाचेर उदक तुट्टा, नेट …य फुडें वता, उद्दीश्टामेरेन पावता: हों उदकाचो …रेन पळयतकीर जाणवता कि हो कुडक्यांकुडक्यांचो … वयरसून सकयलमेरेन हो अेक संपूर्ण प्रवाह. तेच- …ो कथा. 'पणजी म्हातारी जाल्या' हातूंत तिलू … अशेतरेन भरशिल्यात– म्हळचार कुशीक उडोवं

येतात. पुण संपूर्ण कथेंत ते गरजेचे 'अेक आसलो काबुली' कथेंत पळयात. अेका परिच्छेदाचो दुसऱ्या परिच्छेदाकडेन चडसो संबंद ना. तरीकूय कथा फुडें वता. अन ली कथा अनानूच बरोवची. देखुनूच हांव तिका 'अनाकथा' म्हण्टां.

अना म्हांबरो अेका काळार तत्वज्ञानाचो प्रोफेसोर म्हुण मुंबयचे अेके कॉलेजींत काम करतालो. देखुनच जावंये तो जिणेवेलें तत्वगिन्यान सोंपेपणान सांगता. 'अेका सामान्य मनशाची असामान्य काणी' हे कथेंत सामान्य मनशाले जिणेचेर अना कितलें सहजतायेन भाश्य करता! म्हाका अेक उगडास जाता–आयेन रांड हे अमेरिकन लेखिकेचे अेके नवलकथेंतलो अेक प्रसंग. नांवाजते वृत्तपत्रसंस्थेचो अेक कल्पक प्रकाशक आनी धनी अेक दीस मारगावेल्या अेका सामान्य मनशाक घेवन संपादकीय विभागांत येता. ताजी सगळ्या स्टाफाकडेन वळख करून दिता. आनी ताका परतो व्हरून मार्गार सोडटा. परतो भितर येवन तो धनी संपादकीय विभागांतल्या स्टाफाक विचारता–

'आतांच येवन गेला तो तुमच्या लक्षांत उल्ला ?'

स्टाफांतले चडशे 'ना' म्हण्टात.

'पर्थून केन्नांय मेळ्ळयार तुमी ताका वळखतले ?'

सगले 'ना' म्हण्टात.

(पान ११ पळयात)

पुस्तकाची वळख :

पणजी आतां म्हातारी जाल्या...

श्री. अ. ना. म्हांबऱ्यान हालींच अेक कथांचो संग्रह प्रकाशित केलिलो आसा, तांतूतले दोन–तीन कथा ताणें खंयतरी, कितें तरी वाचिल्ले तांतूतल्यान जल्माक आयले म्हण्णु सांगल्यां. हेर सगल्यो जें कितें पळेलां. आयकलां, कल्पिलां तांतूतल्यान उप्रासल्यात म्हण्णु तो स्पश्ट करता. हे सर्व कथा आदींच प्रसिद्ध जालिल्यो, ते आतां पुस्तक रूपान अेकठायल्याची.

' अना ' हो अेक विक्षिप्त मनीस. तो भोंवडेकारातरेन चारी दिकांचो संसार पळेता, आयकता, कल्पिता. तांका जो संसार नदरेक दिसता, तो संसार विक्षिप्त दिसता. श्री. देवराय बेंदूर अनाक नारदमुनी म्हण्णं आफयता. हांतूत थोडे सत्य आसा. नाटक–

— नागेश सोंदे

सिनेमांतु ' नारायण नारायण ' म्हणत म्हणत, ताळ–तंबोर वाजयत, तोंडावयर मिस्कील हास दाखयत त्रैलोक फिरचो नारद आनी अनांतु ताका साम्य दिसता. अनाक जे ओळखताची, आनी ताणें उलोवचो रीत, हासची तऱ्हा जाणताची, ते मनां–मनांतु हासत हासत आपण्यालेची तंद्रींतु आसचो मनीस पळेताची, तांका नारद मुनीली याद आयल्यार आश्चर्य जावचे ना.

नारदाले शेंडींतल्यान जे तरेन ताका विश्वांतले खबऱ्यो समजताल्यो, ते तरेन अनाक तागेले भुरभुरिले केसांतल्यान संसारांतले मनीसांले विक्षिप्त वागणूक समजताली अशें दिसता. नारदाले शेंडींतले केसाचे गुंफणांतल्यान रेडीयो–टिवी टोवरातरेन ताका त्रैलोकाचो समाचार मेळत आसल्यार, अनाक तागेले दर अेक केसांतल्यान हें संसारांतले खबऱ्यो, रीत–रिवाज, छंद–धंदे, सवयी नियाळून पोळोवची शक्ति आसा. नारदालें कार्य त्रैलोक फीरनुं एकमेकांक झगडी लावनुं दिवचें आनी तांतूतल्यान कांय बरें वायट जालें तर तें पोळोवनुं मुखार वच्चे आसल्यार अनालें कार्य सामकें वेगळें. तो कथा सांगतां, म्हणता. पुण वास्तविक तो आमगेले मुखार आरसो धरता. आनी आमगेलींची चित्रं आमकां दाखयता. आमीं अभिमानी आशिल्यान आनी आमगेले स्वतःचे व्होडपण अ म्हण्णु मानत आयिल्यान आमी आरश्यांतु आमगेले चित्र प आमकां दिसता दुसऱ्यांले चित्र, शेजार–पाजाऱ्यांले चि तागेले कथा वाचून आमीं हासताची. विचार करनांची. पु कथा संसाराचे चित्र आशिल्यान ताजे वयर विचार करचें आसा.

अनान पुस्तकाचें नांव ' पणजी आतां म्हातारी म्हण्णं दिलां. पुण संग्रहांतली पयली कथा आसा, ' विठू सांडली.' हांतूत चूक जालीलि आसूयेत. पुण अर्थान योग्यर्च विठूली चावी मेळी ना, पैशे मेळे. पुस्तकाचो अर्थ समजलो ना मात्र आनंदित जालें तर विठू तरेन आमकांबी 'भांगराची चा करून घेंव येताली ' पुण संसाराचे प्रश्ने सोडोवचाक जाय अ आमगेले व्यक्तिमत्व समजूवनुं दिवची चावी मात्र मेळची न

संग्रहांतु सोळा कथा आसाची. भाशा सीधा–साधा फटकळ आसा. जो मनीस आपण्याले वयर हासून आपण्य जाणता तो व्होड मनीस म्हणका. विठूले चावी तरेन अ चावी बी आमकां अजून मेळी ना. पणजीक नवे रूप आनी न्हेसयले तरी म्हांतारी ती म्हांतारीची जाल्यां. पणजीचे स ना जालें तर ताका रस्ते सुधरनुं, नगरं बांदून शोभा कशें पणजेक एक रूप आशिलें; तें सर्व गोंयकार – तें गोंयांतु अ गोंयभायर आसूत – उगडास काडताले. पणजीक गेल्यार पदराची हुनसाण भासताली. आनी आतां पणजी टूरिस्टांनी केल्यां. तें आमकां बाजून करता. देकूनु तें आमकां आमगेलें

बदलिले वेळाक लागून मिनेर बदललो आनी ताणें शिकून घेतलें तर पुर्तुगाली प्रोफसर देसाय अजून तुमक मेळताची. तांका पुर्तुगालाले गोंयाभायर नदर वचना. ता म्हळचार पुर्तुगाल गोंय, गोंयकार ते पुर्तुगाल गोंयांतले कोंकणी भाशा ती पुर्तुगाल गोंयांतली. एक झगडें : दोगांचे कथा वाचली कीं माका कोंकणीवादींलो उगडास येता. गों

की गोंयभितरली ? कुळागरांतु प्रमाणबद्ध, शुध्द, कणी भाशेवयर येवचे लेखांचो उगडास येता.

रेन बाब पोरोब सर्गाची पासापोर्त काडटा. तुकल्याली काक ना, भावोजी मेलो, एक सरकारी ऑफीस, एक ली आनी असल्यो विंगड काण्यो एक ना एक विशय स्ले जीवनांतले सवारस्य दाखयता. पिशेपण उक्तें

कथा बरोवचे प्रयोगांतु अना म्हांबऱ्यान एक नवीन ल्या. ती जनांक मानवता हांतूत दोन मत नांची. पुण सांगताना जी शैली स्वीकारता तेन्नां तांतूत विविधता कार खंयचे तरेन आपण्याले कथाचे संकलन करता हें येता.

अस्मिताय आनी आतांचे कथा संकलन हांतूत एक दिसून येता. मेगेल द्रिश्टीन अना म्हांबऱ्यांन ही शैली

अना म्हांबरो एक अर्थशास्त्राचो, समाजशास्त्राचो अभ्यास केलिलो मनीस आसा. अनेक भाशींतले साहित्याचो चव ताणें घेतिली आसा. जेन्नां असले साहित्यावयर तो आपण्याले विचार व्यक्त करता, ते कोंकणी जनांमुखार दवरचे तसले आसाची. देकून 'अनाकथा' ही शैली बदलून आपल्याले कर्तृत्व बदलल्यार ताका स्वतः आनी कोंकणी भाशा आनी साहित्याक एक नवे वळण मेळतालें हातूत संशय ना.

पणजी आतां म्हातारी जाल्या....

लेखक : अना म्हांबरो

प्रकाशक : कुळागर प्रकाशन, गोंय.

मोल : वीस रुपया

—■—

तां म्हातारी जाल्या....

(पान ९ वेल्यान)

ामान्य' मनीस. ह्या मनशाखातीर म्हजो पेपर चलता ारात.' तो धनी आपणाल्या स्टाफाक सांगता.

लेगीत जायते फावटी दिसता— हे लोक जियेता कित्या- लोक ह्या संवसारांत कसली कुरु दवरून वतले ? न्य मनीस ह्या प्रस्ताक सोंपेपणी जाप दिता— 'हांव मनीस. पुण म्हजें असामान्यपण म्हणपाचें तें अितलेंच लोच राम नासतनालेगीत हांव अितलो तेप जगलों तलों.'

अशी अेक खाशेली शैली आसा, तंत्र आसा. ताणें तरी तागेलें नांव वाचनासतनां तें अनानूच बरयलां टा. देखीक कुळागराच्या फेब्रुवारी ८५ च्या आंकांत छापून आयलो. पुण नदरचुकेन बरोवप्याचें नांव ना. पुण तो लेख अनान बरयला म्हणपाचे सगळचांक जाल्यार अुपरांत जूनाच्या आंकांत संपादप्यान खुलासो होलमलें कीं त्या लेखाकडेन अनाचें नांव छापून येवंक

ा कथांच्या विशयांची विविधताय नदरेंन भरपासारकी. जायना' आनी 'घावी सांडली' हांगासावन 'सर- ,' 'वेपार,' 'मिनेर–युनियन' धरून बद्द 'अेका ' लेगीत तातूंत आसपावता. पुण विशय जरी विंगड तरी तंत्रांतलें सारकेपण सगलेकडेन जाणवता.

ी वावुडटना अनाची नदर सदांच नवे नवे प्रयोग रता. कांय कथा इतिहास वा भूगोलाचें पुस्तक बर-

यिल्लेवरी बरयल्यात. देखीक 'सामान्य मनशाची असामान्य काणी' वा 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या.' 'सर्गाची पासपोर्त' हे कथेंत तर आख्खी प्रस्नोत्तरीची पत्रिकाच आयल्या. 'दोगांचें झगडें' कथा म्हळचार फकत संवाद. 'सरकारी ऑफीस' हो जसो अेक खबरे पत्रांतले आयताराचे पुरवणेंतलो लेख. आनी देखूनच, खुबशे वाचपी ह्यो कथाच न्हय अशें लेखतात. वा थोडीशी तडजोड म्हणून तांकां अ–कथा अशें नांव दितात.

अेका वचप्यान अनाली कथा वाचून तणतणून म्हळें :– 'हातूत कथा कसली आसा–मडसरेची ?' त्या वाचप्याक कथा जाय आशिल्ली म्हणचेपरस काणी जाय आशिल्ली. अनाले कथेंत कथानक नाशिल्लें. दुसऱ्यान ताका समजायलो— 'ही अेकविसाव्या शेंकड्यांतली कथा. मॉडर्न कथा— कथेंत कथानक आसूंकच जाय असो आगरो आतां कोण धरीनात. देखुनच हे कथेक अ–कथा म्हण्टात.' तें आयकून तो वाचपी आनीक ताणशेलो— 'ही अ–कथा कसलो ? ही ना–कथा !'

हीं अ–कथा काय ना-कथा ह्या वादापरस हांव तिका अना कथा म्हणून फुडें सरता. तुमी जाणातूच गणितांत वजा, गुणिले वजा म्हळचार अदीक (minus into minus = plus) जाता. त्या नेमाक धरूनूच आमी म्हणुंया ही अ–ना–कथा म्हळ्यारूच अदीक कथा.

हो कथां–झेलो उजवाडावन 'कुळागरा'न साहित्य सर- स्पतेच्या आंगार अेक मोलादीक वस्त भेटयल्या.



तेफळां–२

— तेफळू

गोंयच्या आकाशवाणीच्या जिनसांवर कार्यावळींक कांय बरीं नावां आसात : चडकरून फुलांची 'भूयचाफीं', 'कांदलां–ओंवळां', 'शब्दुली', हीं जालीं कोंकणी गितांच्या कार्यावळींची नांवां. अेके मराठी कार्यावळीक 'मधुघट' अशें नांव आसा पुण तातूंत चर्चा वा जे विशय येतात ते मात नावांक समर्पकशे दिसनात. आकाशवाणीवेल्या अेकूण कार्यावळींनी (त्यो सरकारी आशिल्ल्यान जावंये) खटकपासारकें जायते आसता. आता ही 'शब्दुली'च घेवया. ही कोंकणी भावगितेची कार्यावळ बरी सकाळची ७। क सुमार आसता. आनी सांगात 'शब्दुली' ही सकाळची फुलतना केन्ना तुमी पळेल्या ? हांवें म्हजो हो 'नैसर्गिक' दुबाव आकाशवाणी–वेल्या आमच्या अेका म्हालगडया अिश्टाक विचाल्लो. ताणें सांगलें, 'ही गितांची कार्यावळ पयलीं सांजची जाताली ती कांय कारणांक लागून आतां सकाळच्या वेळार वितरायतात. मुजरत तुमी हो मुद्दो काडून आमकां प्रस्न विचाल्लो म्हुण देव बरे करूं. आतां ही शब्दुली हुमटून सांजेच्या जार्दीनांत लावंची काय ती सकाळचीच दवरून तिका दुसऱ्या खंयच्याय फुलाच्या नावाचें 'गार्फ' करचें हाजेर आमी जरूर विचार करतले. तोमेरेन तुमचो आमकां निरोप आसचो, मोग आसा. तो चालीक आनी वाडीक लागचो आनीं सगल्यांचें बरें जांवचें !'

x x x

अुदयबाब भेंब्रो हें कोंकणी चळवळीतले अेक जबरदस्त व्यक्तिमत्त्व. शणै गोंयबाबाफाटल्यान तनमनधनान कोंकणीची पुराय सेवा करपी जे अवघे लोक आसात तातूंत ह्या मनशाची सुवात खुब वयली. हांव जाल्यार खाजगींत तांकां जायतेफावटी 'अुदय गोंयबाबच' म्हण्टां. आतां तो राजकरणात पडला आनी अपक्ष आमदार जाला. मनीस म्हणून हो अजातशत्रू. अ. ना. म्हांबऱ्यान अेकीकडे ताजें बरें वर्णन केलां : म्हांबरो म्हणटा : 'अुदय हो व्यवसायान वकील पुण सगल्यांक न्यायदान करीत भोंवत आसता.' प्रभावी वक्तो. गोंयां अुदयबाबाचे तोडीचो मेळपाक कठीण. पुण हो मनीस मूळचो पिंडान समाजसेवक आनी कवी–साहित्यिक. मुंबय आकाशवाणीच्या सुर्वेच्या काळांत ताणें रचिल्ली कांय सोबीत गीतां आमी नित्यनेमान रेडियोचेर आयकतांत. देखीक :

विसरिल्लें याद करून
लजेवं नाका, लजेवं नाका
... ...
आमी तुमी पयल्या दिसा
दुसऱ्या दिसा नावान अुलें
आरे तुरे तिसऱ्या दिसा
चवथ्या दिसा पिसो केलो

अुर्दू गझल गावप्यांमदीं पाकिस्तानचे घुलाम अली आनी मेहेंदी हसन म्हजे चड आवडीचे. मेहेंदी हसनाच्या आवाजांतली,

रफता रफता वो मेरे
हस्तीका सामा हो गये

ही गझल आयऱ्यापऱ्यान आवडीन आयकतां. पयर शोभा गुर्टूच्या आवाजांतलें वयर सांगलां तें भावगीत आयकल्याउपरांत मेहेंदी हसनाची ही केसेट आयकुपाचो योग आयलो आनी म्हज्या मनांतली टेप घुस्पल्ल्यावरी जावन हांव थामलो. आतां मेहेंदी हसनाचें आयकून शोभाबायन म्हळां काय तिजें आयकून मेहेंदी गावपाक बशिल्लो तें सोडून काडूंक जाय.

अुदयबाबाचीं जायती गीतां आनी कविता आसात. (पुंडलीक नायक अपुर्बायेन ताजें पुस्तक काडपाच्या वावराक लागला अशें आयकलां)

आयलें वारें परतलें
निरोप म्हजो व्हरतलें
मायेच्या गो कुळारा

हें गीत जाल्यार कुळाराच्या अुगडासान आकुळपिकुळ जावपी बायलेच्या मनाचें सुक्षीमपणान वर्णन करपी गीत कुळारचे मायेस्त अुबेची जाणविकाय दरेक अुतरांतल्यान जाणवता ('सांग गो आईक घालूंक दोरो / नव्या गोब्रडे पोळेरा' बी) 'येवंचे तुवें काळखे रातीं' 'आज मळब हांसता निळें,' 'गोंयां तुजी याद येता' आनी हेर जायत्या गितांचो नियाळ करीत रावल्यार हांगाच अुरतलों.

अुदयबाबाचें चड गाजलेले गीत म्हळयार 'चान्याचे रातीं' हो मांडो. फाटीं वेंचणुकेवेळार ताज्या प्रचाराखातीर कांय तरणाटयांनी 'नीतीची तागडी' हें रस्तानाटय २॥ दिसांत २७ प्रयोग करून गाजयलें. (मतां मेळोवपाक ताजो कितलोसो अुपेग जालो देवाक खबर !) पुंडलिक नायक अेका भाशणांत हाजे विशीं अेक वाक्य अुलयलों तें मात अर्थपूर्ण. ताणें म्हळें, 'ह्या रस्तानाटयान वेंचणुकेच्या प्रचाराक अेक सांस्कृतिक वळण दिलें.' तर ह्या रस्तानाटयांत लोकसंगिताचो भरपुर वापर केल्लो. 'चान्याचे रातीं' हो मांडो वेगवेगळें लयींत 'सिग्नेचर टयून' सो वा Refrain कसो वापरिल्लो. कांय किरिस्तांव भावांनी सगल्या नाटयाच्यो टेपी-केसेटी गल्फाक आनी परदेसांक हेर सुवातेर आपणाल्या अिश्टांक आनी

ाबाच्या मोग्यांक धाडल्यो. पुण अेका अिश्टान 'चान्याचे ' मांड्यांत अेक चूक काडली ताजो हांगां अुल्लेख करूंक ह्या मांड्यांतल्यो कांय वळी अश्यो.

किर्णां चंद्राचीं शितळ घेवंया माथ्यार
फुलांच्या वांगडा धोलया वाऱ्या ल्हारार
झाडाचे तेंगशेर कोगळाचो घोंटेर
पिलांकूय गावंदी गीतां
आमच्या सुरार !

ह्या अिश्टान म्हाका प्रस्न विचाल्लो : कोगळाचो स्वताचो असो र केन्ना आसता व्हय ? ताजो दुबाव तेन्नाच्यान म्हज्या मनांत र करून रावला. अुदयबाबाक मेळपाचे योग आतां अुणे अुणे क लागल्यात. जेन्ना तांका मेळटां तेन्ना नेनकं हच विचारपाक रता.

X X X

लक्ष्मणराव सरदेसाय हें आमचें मराठी-कोंकणी साहित्यांतलें म्हत्त्वाचें पेणें. बाकीबाब– लक्ष्मणराव हांचो अेकाच दमांत ख करपाची चाल आसा. हालीं तांची (वयोमानानुसार) त सारकी नासता हाजो आमकां हुस्को जाता. हो आयुष्यभर तेर आशिल्लो अेक 'तृप्त फकीर.' तो दुयेंत आसल्यारूच ाच जाग्यार मात्सो थिरावता. पोरू तो भोंव भोंवत **घटप्रभेक** लो आनी थंयच कांय काळ 'घट्ट' जालो. आतां कायम व रावनशें दिसता अशें तो म्हणटा म्हणून कोणतरी सांगी. रांत तो बरो दुयेंत जावन पणजेच्यान मुंबय पावला (सध्या य आसा अशें आयकला) लक्ष्मणरावांनी मराठी आनी कोंकणी हित्याक जायतें कितें कितें बरेशे दिलां. **कोंकणी साहित्याक ताची रंवर आनी सगल्यां व्हड मोलाची देणगी म्हळ्यार 'मनोहरराय'** ाचो साहित्यिक आनी मनीस. लक्ष्मणरावांच्यो खबरी थळांतल्यो तशो हेर) वाचपांत आनी आयकुपांत अेक वेगळीच ा आसता. साहित्यिक म्हणून लक्ष्मणरावाक लोक मानतात च कलंदर वृत्ताचो अेक दिलदार मनीस म्हणुनय ताका बारीक टो सगळो लोक मानता. (ही कलंदर, अव्यवहारी दिलदार वृत्ति क्ष्मणराव मनोहराकडल्यान शिकलो काय मनोहर बापायकडल्यान कलो हो अेक ल्हानसो प्रस्न !) लक्ष्मणरावाचें खंयच्या तरी वांगावाच्या अेका खंयच्यातरी भाटांत वा ठिकाणांत अेक ल्हानशें रशें अ.सा जातूत कोण केन्ना रावना आनी खास हे खाशेय थंय न्ना पावनात, तर थंयचे भागेली खंय दर वर्सा वाऱ्या पावसांत तें र पडुंक पावता तेन्ना स्वखोशेन आपुण जावन जाग्यार घालतात. खाश्यांची ख्याति आनी खाशेली लोकप्रियताय म्हाका कोणेंतरी ार सांगली. आनी म्हजें काळीज हाल्लें.

लक्ष्मणरावान मराठींत तशीं कोंकणींत गोंयची कांय क्तिचित्रां आपणाले नकसुद धाटणेन बरीं रंगयल्यांत. तांचो रेंदेर' हें व्यक्तिचित्र माडाची उंचाय गांटपी. कोंकणीच्या अेका लेय पाठ्यपुस्तकांत ह्या निबंदाचो आसपाव जाला. ह्या निबंधांत देर,गोंयचो रेंदेर दिसाक चार फावटी माडार चडून सूर काडटा' शें वाक्या आयलां. म्हजो अेक रेंदेर अिश्ट म्हण्टा की खंयचोच **रेंदेर दिसाक चार फावटी माडार चडना. चडूच तो तीन फावटी** चडटा. दुसरे फावट लक्ष्मणराव मेळ्ळ्यार ताका विचारचे पडलें. बरोवपी तो मागीर केदोय व्हडलो आसूं ताणें बरोवचे पयली आनी मागीर तीन चार फावटी तरी आपणाले बरपावळीचेर येवजूंक जाय म्हणटात ते फट न्हय.

X X X

पुंडलीक नायक आतां नाटककार जाला. त्यापयली तो कथा-कार आनी कादंबरीकार म्हुण फामाद जाल्लो. पुण ताणेंय सुरवात केल्ली (खूबश्या बरप्यांवरी) कवितेनूच. ताजी सगल्यांत चड गाजलेली कविता 'म्हजो बांगर बैल' जिणें पुंडलिकाक कोंकणी साहित्यांतलो 'पुंड' (लोक) आनी 'बांगर बैल' अशी अुपाधी दिली. हे कवितेचेर कवी शंकर परुळकार हाणें अेक सखोल अभ्यासपूर्ण तुलनात्मक समिक्षा लेख बरोवन तो अेका दिवाळी अंकान अुज-वाडायल्लो. कोंकणी साहित्याच्या अभ्यासकान मुजरत वाचचो असोच तो लेख जाला. परुळकार म्हणटा :

" 'म्हजो बांगर बैल' ही पुंडलीक नायक हांची अेक अत्यंत गाजलेली कविता. आतां अेखादी कविता गाजता हाजो अर्थ त्या कवितेंतलो पुरो आशय आयकुप्यापर्यंत किंवा वाचप्यापर्यंत पावताच अशें ना. केन्ना केन्ना कविता वेगळ्याच कारणांक लागून गाजता. हे कवितेचो संबंध बहुतेकांनी कोंकणी चळवळीकडेन जोडलो आनी हो कोंकणी चळवळीवा बांगर बैल, दुसरें कांय न्हय अशी तांची धारणा जाली. पुण अशें करतना हे कवितेक आमी प्रचारकी पातळेर देंवय-तात अशें कोणाच्या लक्षांत आयिल्लें दिसना.'

'ही कविता पुंडलीकान बरयली त्याच सुमाराक मराठींतले अेक कवि वसंत सावंत हांची 'बैल' ही कविता प्रसिद्ध जाल्ली आनी फुडें ती गाजलीय. ह्यो दोनूय कविता अेकाच व्यासपिठावय-ल्यान कवींच्या तोंडसून आयकुपाचो लाव म्हाका मेळ्ळो. ह्या दोनूय कवितांचें केंद्र जो बैल तो सामर्थ्याचें अुसळटचा शक्तीचें प्रतीक म्हण वावुरता. दोनुय कवींनी आपले पिळग्यांचें नातें बैला-कडे जोडलां पुण हें साम्य अितल्यारूच सोंपता...'

... ...

'सावंतांची कविता वाचतकच अशें दिसून येता की तातूंत केल्लें वर्णन हें अेकेच तरेच्या बैलाक लागू पडटा आनी तो म्हणजे बांगर बैल. बांगरबैल म्हण्टकूच कोणाच्याय नदरेमुखार रावता तो अेक जुवान बैल. आंगापांगान भरिल्लो, पेरार आयल्लो, कोळ थवथवता, नदरेंत रक्त चडला असो. देखुनूच ताचें वेगळें वर्णन करपाची गरजच पडना. ह्या वरवीं अशें दिसता की सावंतांच्या सगळ्या कवितेचें summing up पुंडलिकान बांगरबैल ह्या अेकाच शब्दान केलां आनी तो फुडें सल्ला. (कोंकणी ही मराठीपरस चड निर्मितीक्षम आसा अशें दाखवपाचो हो म्हजो प्रयत्न असो समज कोणे करून घेवंचो न्हय)'

('कासऱ्या कानयेक बदना'. कों. भा. मंडळाचो 'कोंकणी' दिवाळी अंक १९७८ पा. ५७.)

पुंडलीकाची ही कविता ताजे तोंडसून हांवें खूबदां आयकल्या.

सावंतांची 'बैल' कवीच्याच आवाजांत आयकुपाचो योग पोरूं आयलो. जालें कितें, मडगांवच्या दामोदर वाणिज्य म्हाविद्यालयांतलो आमचो कवी– मित्र मराठीचो प्रो. विजय सातपुते हाणे आपणाले आवयचे यादीक ओंपून अेक कोंकणी मराठी काव्यस्पर्धा पोरूंच्यान सुरू केल्या. ह्या पयल्याच सुवाळयाक कोंकणीचो वक्तो म्हुण अुदय भेंब्रो आनी कवी म्हुण पुंडलीक नायक तशेंच मराठीखातीर 'गोमंतक'चे संपादक नारायण आठवले आनी कवी वसंत सावंत हांकां आमंत्रीत केल्ले. आतां अुदय भेंब्रो आनी नारायण आठवले हे वक्ते म्हूणून आपयले तरी ते यकवीच हें सगल्यांक खबर नासुये. अुदयबाब अेक वेळ सोडात. पुण आठवले कवी हें खूप थोडयांक खबर आसतलें.

अेक काळ असा होता
खाण्य पिण्यांत मजा होता
आतां मात्र जमत नाही
कारण आम्ही वृद्ध झालो.

ही तांची गाजलेली कविता. आजय खंय चान्स मेळत थंय ते ती तापयतात.

प्रो. सातपुतेंची काव्यस्पर्धा बरी जाली. पुण आठवले येवंक पावलेना. पुंडलीक गोंयांभायर खंयतरी गेल्लो. ताकाय येवंक जमले ना (ताणें तशें पयलीच कळयल्लें. कारण नासतना बैलांची 'धीरी' नाका अशें ताणें येवजिलें काय कितें ताकाच खबर.) सावंतांनी आपणाली 'बैल' वरी वाचली तेन्ना खिणा खिणाक म्हाका आमच्या 'बांगर बैला'ची याद येताली. सावंतान आनीक अेक कविता वाचली जिचेवेल्यान म्हाका 'अणुयुगाचो हरिविठ्ठल' ह्या पंडिताचे कवितेची बेठीच यादशी आयली. प्रो. सातपुतेली स्पर्धा गाजली वेगळया कारणांक लागून. प्रोग्रेसीव्ह स्टुडन्ट्स युनियनाचें अेक 'कविकिरण मंडळ' आसा. तातूंतल्या खंयच्या तरी अेक काय दोन कवींचेर अन्याय जालो (अशें तांका दिसलें म्हुण ताणी बक्षिसां मुठी आवळून 'डिमांड' करीत आवाज चडयलो. मनोहररायांची धूव नवोदीत कवयित्री (जी स्वत: स्पर्धक आशिल्ली आनी तिका कांयच मेळूंक नाशिल्लें. तिणे मात या तरनाटया कविमित्रांक लेखून विचाल्लें : 'तुमी प्रोग्रेसिव्ह स्टुडन्ट्स काय अग्रेसिव्ह बी रे !' (मनोहररायांची धूव सोबली खरी) 'तुमी सगले परीक्षक बोंडें, तुमकां काव्यांतलें कितें कळटा ? तुमी परीक्षक रावपाचे लायकीचे न्हय' अशे तरेचे अुद्गार संतप्त अग्रेसिव्हांनी परीक्षकांच्याच तोंडार माल्ले. परीक्षक कोण आशिल्ले खबर आसा ? १) प्रो. नरेश कवडींचो चलो शरद नरेश २) प्रो. सोमनाथ कोमारपंत आनी ३) प्रो. वेलेकार (चार्टर्ड अकाउन्टंट) आयोजकांनी परीक्षकांचें मत प्रमाण मानून ते ताका घट दिसून रावले ही बरी गजाल.

तात्पर्य धीरी ही लागलीच पुण ती वेगळयाच प्रकारची. आमच्या तिर्सुवाद अिश्टान 'बांगर बैलाचेर' लावपाक व्हेल्ले पयशे ताज्या बोल्सांतूच अुल्ले.

X X X

मराठी साहित्यांतल्या कांय कविनी काय रूप केल्यात. देखीक बालकवीचो 'औदुंबर' म्हाका दिस कारान (गदि.) 'गुलमोहरा' क (म्हजें बाबतींत त चिरंजीवी केला:

कौलावर गार वेल
वाऱ्यावर हळू हलेल
गुलमोहर डोलता स्वागत तें केवढे
त्या तिथें पलीकडे तिकडे
माझिया प्रियेचे झोपडें.

(सिनेमा : 'लाखा

आमच्या बाकीबाबांनी (बोरयेच्या) वडाक अ वर केला :

त्या दिसा वडाकडेन गडद तिनसना
मंद मंद वाजत आयलीं तुजीं गो पांयजणां

कित्याक म्हूण कोण जाणा, बाकीबाबाच्या गुलमोहराकडे साम्य आसा. वयर दिल्यात त्यो वळी प ह्या व्हडल्या कवीचें त्रांगडें कळपाक कठीणूच. अेके भाशांतर लेगीत अशेतरेन करतात की कोणाकूय अशें भाशांतर न्हयच. आतां ह्या ग. दि. मांचें 'नाच नाचु दमलें / थकले रे नंदलाला' हें गीत (सिनेमा : जगाच्या घेयात. तें सूरदासाच्या अेका पदाचें भाशांतर म्हुण स दिसत ? (म्हाका ही खबर गजानन रायकारान सांगल बाबांची 'अुगड तुजीं नयनदळां शामसुंदरा / भांगर कळस विश्वमंदिरा.'

ही भूपाळी बाकीबाबान सांगलां म्हणूनूच ती हें आमकां कळ्ळां.

X X X

पुंडलीक साहित्य साधनेवांगडा हाजीं ताजीं पुस्तक मार्फत काडप, हाका ताका (बरप्यांक) प्रोत्साहन काडप ह्यो राटावळी करीत आसता. चंद्रकांतबाब केणय हें कोंकणी कवितेचे द्वैमासिक ताज्या हातान दीव सा रमेश भ. वेळुस्काराक माथ्यार बसोवंक लागला ता अुरूंक ना. 'ऋतु' कडल्यान मागणी वाढत आशिल कविता बरोबर दिवच्यो सोडून प्रो. श्याम वेतेंकारांवरी अ हें लोकवेद येकठयांय करून 'ऋतुत' शापीत आसता रमेश, शापता पुंडलीक). म्हजो अेक तिर्सुवाद म्हण्टालो, 'ऋतु' आपणाली मोलादीक पानां अनाठायीं होगडायता हें पुंडलिकाक कळनाशें दिसता. मज कोंकणी काव्याक 'निरुत्साही' करपी (?) आनी कों 'खच्चीकरण' करपाक (?) भायर सरिल्लो तो, चं 'कुळागर,' 'ऋतु' चो बी धनी) स्थितप्रज्ञसो अो हें सगलें 'राष्ट्रमतांत' बसून पुड ओडीत तटस्थतायेन ('ऋतु'चे वाचपी थंय नाकयां शिको काडटात.)

*

नवीं पुस्तकां

लोकवेद)
: **प्रो. श्याम वेरेंकार**
पी : कोंकण टायम्स पब्लिकेशन,
बेतीं, बार्देश, गोंय.
रुपया मुखचित्र : दिगंबर शिगबाळ

: **अरुण सी. शिगबाळ**
पी : शणै प्रकाशन, वेर्लीग, गोंय
रा रुपया मुखचित्र : श्रीधर का. बांबोळकार

: **व्हॉल्तॅर**
: **मनोहरराय सरदेसाय**
वी : साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली
दरा रुपया

ज : **प्रकाशचंद्र गुप्त**
: **ओलिव्हीन गोमिश**
पी : साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली
ार रुपया

तांकां मनशांत हाडले
ती : **झवेरचंद मेघाणी**
: **रवीन्द्र केळेकार**
पी : साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली
चवीस रुपया

भायली गोडी (अेकांकी खेळ)
बरोवपी : **हेमा पुंडलीक नायक**
अुजवाडावपी : अपुरबाय प्रकाशन, वळवय, फोंडें, गोंय
मोल : **पांच रुपया** मुखचित्र : दिगंबर शिगबाळ

आळशांक वाग खातलो (बालनाटिका)
बरोवपी : **पुंडलीक नारायण नायक**
अुजवाडावपी : अपुरबाय प्रकाशन, वळवय, फोंडें, गोंय
मोल : **धा रुपया** मुखचित्र : श्रीधर का. बांबोळकार

सूर्यसांवट (नाटक)
बरोवपी : **पुंडलीक ना. नायक**
अुजवाडावपी : अपुरबाय प्रकाशन
मोल : **धा रुपया** मुखचित्र : श्रीधर का. बांबोळकार

वसंतोत्सव आनी दायज (नवलिका)
बरोवपी : **पुंडलीक ना. नायक**
अुजवाडावपी : अपुरबाय प्रकाशन
मोल : **पंदरा रुपया** मुखचित्र : श्रीधर का. बांबोळकार

कोंकणी कथासंग्रह
संपादक : **चंद्रकांत केणी**
अुजवाडावपी : साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली
मोल : **चाळीस रुपया**

हांव मनीस अश्वत्थामो (कविता)
कवी : **प्रकाश दा. पाडगांवकार**
अुजवाडावपी : अिश्टागत प्रकाशन, पणजी, गोंय
मोल : **पंदरा रुपया** मुखचित्र : दिगंबर शिगबाळ

पणजी आतां म्हातारी जाल्या... (कथा)
बरोवपी : **अना म्हांबरो**
अुजवाडावपी : कुळागर प्रकाशन, मडगांव, गोंय
मोल : **वीस रुपया** मुखचित्र : सुरेश प्रधान

‘कवी सपनेतना’

– ग. का. साकोर्डेकार

(अशाच येका कवीची रूम. रातची वेळ. दिवो लावन कवी कविता बरयता. साताठ बरोवन जाल्यात. कवी मान सकयल घालून बरयता. धुंवर सोडपापुरतो मान वयर करता. दाव्यावटेन बरोवपाचे कागद आसात. उजव्यावटेन बरोवन जाल्ले कागद. ग्लास, सोद आनी हेर साराय आसा. दाव्यावटेनच्या ट्रंत कागदाचे रीम आसा. इतल्याभितर प्रतिभा दारार मारता.)

प्रतिभा : टक् टक् टक्... हांव भितर येव ? बेलवील कांयच बसोवकनाशी दिसता... हांव भितर येवं ?

कवी : कोण रे तो ? दार उकतें आसा तें दिसना ?

प्र : हांव तें प्रतिभा.

क : यो, ह्या कागदार बस, म्हज्या म्हऱ्यान... आं ? कोण म्हटलें ?

प्र : हांव तें प्रतिभा ! वळखना ?

क : प्रतिभा ? कोण प्रतिभा ? खंवटे गो ? आईन धाडलां गो. डिफिकल्टीज सोडोवपाक ?

प्र : हें खंवटे कोण म्हाका खबर ना. हांव प्रतिभा ! ओरिजनल प्रतिभा... जी केन्नाय ‘ ना खंवटे ’

क : तूं आनी खंय वाट चुकली गे बाये ? हांव केन्ना तुज्या फाटल्यान लागलो ना. तुजी तपच्चर्या केलीना !

प्र : हांव तुगेर म्हणून येवक ना ? म्हाका कवी ‘ फेणविहारी ’चो नामो मात्सो सांग... आरे ? ‘ फेणविहारी ’ चें खरें नाव कितें ? आनी फेणविहारी म्हळ्यार कितें ?

क : फेणविहारी तुका खबर ना ? चडशे लोक प्रदूशणाचेर जगतात थोडे उपोशणार, थोडे ‘ ऑक्सिजनार ’ थोडे राजकर्णार थोडे भाशेर जगतात. गोयांत कितलेशेच लोक फेणयर जगतात. तांतूतलो हो येक. ता[…] माणकू फोणवेकार.

प्र : खंय रावता तो ? कशें वचप ?

क : फोणव्यात ... सामखें सोपे. आदी प्रासार वच[…] रेची कदंबा धर. ओवळीकडे देंव. थंयच्या […] सायकलीर बसताय न्हय, भाडयाच्या ?– मे[…] तारीर वच. तार पलतडीच आसतली. कुकं[…] ल्यार येत. ना, येतलो. न्हंय तशी ल्हान आ[…] पळयल्यार आलतडो दादलो आसा काय बाय[…] काय तरणी हें वळखुपाक येता. तुका पळोव[…] ना म्हज्यान सांगू नज. हांव जाल्यार मात्सो […] आसलो, तें आसु. पलतडी वचून पाऊगवर ये[…] आनी बिब्या कडल्यान सकयल देंव, बिब्याक […] सादो बिबो न्हय ! येकाद्री तुका बिबी बीबी […] कितें सांगत तो ! सकयल देंवलें की पावलें […] कवीचें घर आसा. घराची खूण म्हळ्यार […] म्होडलां आनी भायर पोन्न्यो पिरपिरीत […] घातिल्यो आसतात. सुकच्या पयलींच त्यो प[…] भिजतात. तुका कवी थंय मेळप कठीण.

प्र : तूं यो म्हज्या वांगडा. तुजो दिसावडो कितें तो[…]

क : कितें ? कवीचो दिसावडो ? जीब झडली कश[…]
आजून कसो रे हो सूर्या मळबांत आसा ?
आजून कसो रे हो दर्या झेमत असा ?
आजून कशीं रे हो चंद्रीम उदेत आसा ?
आजून कसो रे ही नखेत्रां हिच्या बोडार पडली[…]

प्र : तें कवितेचें आनी डायलॉगाचें मागीर पळोवया[…] ताका लागून जाता तशें तें. तें पाडपडूं, […] उलोवया.

क : पुण फेणविहारीकडेन कसलें काम आसा ? […] करूंक शकचो ना ते ? कसलें साइत्यिक ऑब्र अ[…] तसो वेळ नासता गो, पुण ‘ पेड ऑब्र ’ आस[…] सोडपना अशें म्हजें अेक तत्व आसा. लक्ष्म[…] करपाक जाता ? सरस्पतीक मात्शें हेवटेंच तेव[…]

प्र : कितें उलयता तूं ? कवी मरे तूं ? सरस्पतीचो […]

क : च्यें ! कोणे सांगलें तुका हें ? म्हाका लक्ष्मी […] हांव कितेंय करूं शकन. म्हज्यान दुसऱ्या को[…] बरोवन घेंव येता. पैशान आयज सगलें मेळ[…] आसा तें आदीं सांग.

प्र : काम तुमच्या साररूयांच्या नदरेन सामखें म्ह[…] फायद्याचें आसा. कोंकणीत कांय म्हत्वाचीं[…] मानाच्यो कदेली. कांय नव्यो तयार जावपाच्य[…] खालीं जाल्यात आनीक कांय खालीं जावपाच्य[…] भायर कोंकणी अकादेमीत कांय पदां आसात.

क : बरें, पुण तुजो हाचेकडेन संबंधूच कितें ?

आमी हें वयल्यान सगळें चलयतात अशें तुमीच मरे लोकांक आनी तुंमीच विचारता आमचो संबंध गून ?
ड पडूं पुण फेणविहारी कित्याक ह्या कामाक ?
ामी वेंचून काडला.
कोणाक काडल्यात ? कवी इस्णुसुत आसात तातूंत ?
कोण ?
ण ! तुज्या मुखार बसलां तो हांवच ! पदां खंयची
ासात सांग पळोवया ?
'Confidential' आसा.
?
खूब आसात. रविंद्रपद आसा, रविपद, चंद्रपद द आसा, पुरूषपद आसा, मनोहरपद आसा त्या ायतीं अनरजिस्टर्ड पदां आसात. कांय पदां सध्याच ासात. देखिक बाकीपद.
त्या पदार दोन तीन जाण आपापले क्लेम लावन पुण म्हाका सांग हीं पदां बेगीन खाली जातलीं ? खंयची खंयची जातली ?
तुका सांगू शकना ? पुण केन्ना ना केन्ना तीं मेकळी . कांय जणांक तीं मेकळी करपाची तांक नासता. ांची पदां हाचे आदींच गेल्यात पुण तें आजून तांच्या विंक ना. पुण तें आसू, आदी आमी फेणविहारीगेर

चें ना. खंयचो फेणविहारी आनी खंयचे पद ! पैर ष्टी लावन भोंवतालो. म्हज्यामुखार चलना ते ताजे

ड्, चल घाल तुजी बंडी आनी उखल तुजी झोळी.
येना. आनी तूंय वचू नाका. आमी हो प्रस्न आमच्या फडेन व्हरतात. पदां कोणाक दिवपाची हाची सारखी माण वेवस्था जावपाक जाय. कोण जेश्ट कोण श्रेष्ट र येक कोण नंबर धा तें कायद्याप्रमाण धरपाक

कायद्यान कशी थरयतले तुमी ?
ना जाल्यार सॉर्ती घालून पळोवपाक जाय. जाचो गत तो शाणो, श्रेश्ट.
कोण साइत्यिक हें कशें थरोवपाचें ? हांगा सगलेच साइत्यिक लेखतात.
यार कोण साइत्यिक आनी कोण नाटें लेगीत सोर्ती रोवचें.
त र भानगडी जातात.
ड्. हांतूतले येक पद म्हाका मेळपाक जाय.
हाकातरी शक्य दिसना.
? हांव कितें कुड्डो आसा का पांगळो आसा ?
पुण.

क : तें कांय चलचें ना. म्हाका पद दिवचेंच पडटले. हांव मंत्र्याचो फावोर लायतलो. दिल्लो मेरेन ह्या प्रश्नार वचपाची म्हजी तयारी आसा पुण ह्यो नेमणुका सारख्यो कायद्यान जावपाक जाय आनी म्हाका येक बरें पद मेळपाक जाय.

प्र : पुण तुमच्या गोंयच्या मंत्रिमंडळांत खंय आनिक वाड करतात. तांतूतलें अेक पद तुमका मेळळचार कशें ?

क : आगे बाये म्हजे ! आनी किते विचारता मागीर! असली सतरा साइत्यिक पदां त्यागून हांव त्या पदाखातीर म्हजो वेळ दितलों. पुग हें साधवप कशें ?

प्र : सोपें आसा. साइत्यिकांक मंत्रिमंडळांत Represantion ना म्हणून चळवळ करात. लेखक युनियन आसामू तुमची ? कांयच जायना जाल्यार जातीयवाद करात ?

क : च्ये च्ये ! आमी जातीयवाद करपी न्हय ! आमी साइत्यिक!

प्र : तसलो जातीयवाद न्हय ! सांगता तें आयकात. साइत्यिक हे लोकांपरस वेगळे की न्हय ? मागीर साइत्यिक ही वेगळी जात अशें येकदां तुमी Recognise करून घेवपाची खोटी. झक मारीत मंत्रिपद तुमच्या फाटल्यान धावन येतलें. ह्या खातीर आंदोलन करू शकता तुमी. भाशणा करपाक, चळवळी करपाक जाणात तुमी. सरात फुडें हांव आसाच फाटल्यान. बरें येतां, गुडनाइट !



ऑट घटकेचो भट !

—गजानन

चवथीचो दीस. भयणीगेर पावलों तेन्ना दनपारची तीन वरां जाल्ली. म्हाका वसरेंत सरताना पळोवन भयणीन 'बैस रे येतें' म्हणलें आनी ती भितर वचून उदक आनी गोडाचो मोठोसो खडो घेवन भायर आयली.

'नेवऱ्या दे नेवऱ्या ! गूळ कसल्या दितेस ? जंव व्हायेस ?' हांवें म्हटलें आनी भयणीनूय हांसून उत्तर दिलें.

'नेवऱ्यानी काय असते ? गूळ नसतो रे ? तुझा कायच्या काही बोलायचा स्वभाव ! ...'

कपडे काडून हांवें हातपांय धुले. न्हवान कपलाक पिंजर लायली आनी भयणीन मोगान वाडिल्ल्या वसकेंत पानार बसपाक आनी भायर कोणतरी आयलो.

'ये भटणी ! भटणी ! ये भटणी !' भायल्या मनशाक 'आयलें, आयलें' अशें सांगून भयण भायर गेली आनी कोण इतल्या ताकतिकेन आपयता ते तरी पळोवया अशें म्हणून हांव सुद्धा पानार जेवक बसपाचे सोडून भायर आयलो.

'भटणी ! किते गे हे ! चार वरां जावन गेली ! आजून भट गणपतीक पुजेक कांवक पावना ?'

'आजून पावूक ना ? त्या भुरग्याक धाडला मरे तुमच्या वाडचार दनपारांच ! आजून तुगेर पावूंक ना ?'

'पावूक ना तर गे ! भुरगीं बोंबाट मारता वाड वाड म्हणून आनी भटाचो पत्तोच ना ! भट पावना जाल्यार चड भट हाडूंक जाय तुमी ! चवथी दीस अशी लोकांची वांदल करप म्हणजे किते गे ?' त्या आयिल्ल्या मनशाक भयंकरच राग आयिल्ल्या-सारखो दिसतालो. उलवणे आणि विडी ओडून धुंवर सोडपें ही दोनूय कामा ताका वरीं जमतालीं. ताच्या पिरायेचो अंदाज करचें कठीण आसलें. वीस ते पंचावन हांच्या मदीं खंयतरी आसची. आंगान भरपूर लास आसलो पुण उंचाय इतली की तो मोटवोच दिसतालो. ताचें पोट भलतेंच मुबारक. तें इतलें फुडें आयिल्लें की ताका आणिक फुडें येवपाक बिलकूल स्कोप नासिल्लो ...

'भटाक घेतल्या शिवाय हांगासल्यान हांव उठचोंच ना' अशें म्हणून तेणें थपकूलच माल्ली.

'आनी व्हो भट आसा तो ? तेका धाड मरे ?'

भयणीन म्हजेकडेन पळयलें. भावजी आनी चवथीखातीर आपोवन हाडिल्ले अेक भट अशे दोनूय भट आजून घरा येवंक नाशिल्ले. म्हाका ताच्या वांगडा वचून गणेशपूजा करून यो अशें सांगपाच्ये भयणीच्या जिवार आयिल्ले. तो म्हाका सांगचीच आयिल्ल्या मनशाचीं भुरगीं उपाशी आसात हे लक्षात ये[...] म्हटलें—

'हांव येता पूजा सांगपाक. चल या !'

'हें ! तू काय सांगणार पूजा ?' अशें म्हणून भ[...]खूण केली आनी भितर गेली. हांव फाटोफाट भितर ग[...]

'तू उपाशी आहेस ! जेवायचें सोडून कुठें जा[...] पुजा येते ?'

पुण भयणीचे आयकता आयकतांच हांवें दांड[...] ओडलें आनी खिणभरात न्हेसून हांव भायर आयलो. '[...] तरीं खाऊन जा' अशें भयणीन सांगलें. पुण तो मेरेन[...] पाळण देऊन सकयल पाविल्लें.

'कितलेशें पैस आसा घर !'

'खंय गा ! हें पळय दिसता ! रोकडे पावतले[...]'

'तुजें नाव किते ?'

'शंभूलो !'

शंभूल्याक आपले घर हें पळय दिसता 'इतलें ल[...] पुण थंय पावपाक पाऊण वर लागलें.' थंय पावता[...] शेतवडी बोन मानशी सात आखाडे आणि कितलेशेच[...] पार केले.

'हें पळय आयले !' शंभूल्यान म्हटले. आ[...] भियेत फुडे पळयलें. पुण आता मात घर खरेंच आ[...] शंभूल्याच्या वंशाच्ये पांच स दिवे आपापल्या परीन प[...] स्वागत करताले.

'दादू आयलो ! भट आयलो !'

'आवय दो ! बोत आइलो !'

दारात पावतकीत मगळघान बोवाळ केलो.[...] कोणतरी चलोच चडकरून पाळण्यातल्यान ह्या बोव[...] क्रांतीसारख्या आवाजांत रडून साथ दिताली. [...] मेजार पळोवन हांव तोंग धांपूक विसल्लो. निमी [...] कुडी आसल्यो आनी भुरगीं ह्या कुडीतल्यान त्या कुडी[...] अेकामेकाचो पाट धरताली. ह्या भुरग्यांच्या क[...] उसळपार बोवनये म्हणून हांव पुडवें न्हेसून घटकेर[...] त्या भुरग्यांक अशी मजेत किचाळची मारीत खेळ खेळ[...] म्हाकाच खूब भूक लागली आनी जेविनासतना आ[...] घेतकेंत ती चडून वाडली.

भट पयलो प्रश्न विचारता तोच हांवेय विचाल्लो· जाल्या मरे सगली ?'

! तयारी कँप्लेट सगली ! आगो वत्सलऽऽ' अशें वत्सल शंभूलो सरळ रानच्यें कुडीत गेलो !

कुडीनी बारीकसाणीन नदर मारीतकीत तांतूतल्या गपती आसा हे म्हाज्या रोकडेंच लक्षात आयलें. काळखांत मन घट्ट करून हांवें पांव घातलो मात समजणेपरस ती कुड चड खोल आसली म्हणून भूल्याच्या कामाळ बायलेन योग्यवेळार दाटशें शेण ा यें– पुण म्हजो पांय निसल्लो आनी इतल्यान उखल्ल्याकारणान दोनूय पांय वरशे जावन हांव ग आडवो जालो. कमर धोडावलें ते खरेंच. पुण ो ही लज म्हणून हांव कांय जावकूच ना अशा आनी कोणेंच पळोवना ! असो विचार मनात येता ल्या पोरान अेकदम बोवाळ केलो.

डलो. दादो ! भट पडलो !' आणि तें आयकून पडले ! शंभूलो आयलो आनी म्हज्या फाटीच्यें रवडून काडूक लागलो. शंभूल्याची बायल दवलोच ायली आनी भ ह्या अक्षराकूच भसाक करून की शंभूल्यान प्रसंग वोळखून फुडयातल्या गणपतीची ना सटाक करून अेक तारवटी गाळ माल्ली. त बोट घातले की ना तें काळखांत दिसूंक ना पुण करचें तें ना समजून शेणात बुडिल्लो वालोच खांदार ाणो हांवें शेणातलो किडो शेणातच उरना असो नी म्हटले–

ा फाटीच्यें शेण खरवडीत रावू नाका ! साडेचार ली. चल पळोवया सुरू करूया ! '

! करूया सुरवात ! तुमी मात्सो गणपती थारयात· ाटोळी बानता ! किते आसा भटजी... गणपती ा बरें जमना.' ते शंभूल्याक जमना हें दिसतालेंच. मेजार बसून फुडें पळयनासतना तिरको धुंवोन ायर पळयतालो. घडयेक तेकाय उजवाडाचें म्हत्व ल्या पासून कळूक लागलें जांवये !

ा बायलेन शेण सकाळी सारयल्लें. पुण ताचेर घाण केल्ली तेन्ना परतें सारोवचें पडलें. परतीय जोडयेक येक दोन भुरग्यानीय घाण केल्ली पळोवन य की तिसरे फावटीचें शेण भटार नदर पडल्या ! ' कुडीतल्या शेणात पावलां मुंगरता गे कित्याक हांवें विचाल्ल्याबराबर तिणें म्हाका तीन शेणांचो भरपूर शब्दांचो वापर करत सांगलो कीं हांवें तली ? चड उलोंवकूच ना. तांदूळ नाल हाडलें ? ची पाना आसा ? नासल्या नासू ! अशेंच गरजे- म्हणून उलोवपाक लागलो. तें सुटच नासलें कारण शंभूलो रोखडोच येतां हां भटा ! अशें म्हणून जो गुप्त जालो तो बरोच वेळ येवकूच ना ! म्हज्या पोटांत कावळे रट्टाले. खंयच्यान ह्या शेणात पडलो अशें म्हाका जाल्लें ! निमाणी म्हाका शक्य आसली तितली तयारी हांवें केली आनी उल्लेली ' गणपती पाव रे बाबा ' म्हणून ताचेर सोडची अशें थारायलें. कारण 'गंधाचे कांडी पळोवया' असो हुकूम हांवें शंभूल्याक सोडपाची फुरसत की तो आपल्या असिस्टंटाक बायलेक शेजाऱ्यांगेर धाडटालो· अशें करून म्हज्या फुडयात शंभूल्याल्या शेजाऱ्यांच्यो बरोच वस्तू जमल्यो. घांटी–चिपूट पडगो.

'तूं योरे पुडवें न्हेसून ?' अशें शंभुल्याक हांवें म्हटलें आनी म्हाका येकदम रडच्येंच अशें दिसलें. कारण ' रोखडोंच न्हावन येतां दोन तांमये' अशें म्हणून शंभूलो त्या साडेचार वरांच्या टायमार गणपती पुंजपाखातीर न्हावपाक गेलो ! न्हावन मात खऱ्यानीच रोखडो आयलो ! वोलेल्यानीच तो भितर आयलो आनी तेच्या आंगार काष्टी आसा हें बऱ्याच बारीक साणेन पळयतकीत म्हज्या लक्षात आयलें. हांतूत काळखाचो, शाबवाचो की शंभूल्याच्या रंगाचो चड दोष हें गणपतीकूच खबर ! पुण हांतूतल्या प्रत्येकाकूय थोडे थोडे क्रेडीट वतालें !

' आगो तू भितर कितें करता ? म्हाका न्हेसय पैली !' अशें म्हणून शंभूल्यान पेटेंतलें नवे पुडवें काडलें आनी बायलेचेर कांचेवलो ' आगो कान फुटल्या तुजे ? म्हाका पैली न्हेसय !'

' हांव बाक च्या पाजयतां ! भटजीक सांग न्हेसय म्हणून !' निमाणें हय ना हय ना करीत वेळ फुकट घालोवंचे परस तें कर्म येकदा करून उडयलेलें बरें अशें म्हणून मोठ्या यत्नान हांवें तें पुडवे शंभूल्याच्या काळ्या कुळकुळीत दोंदार मोठ्या यत्नान बांदले ! चोराक कांस सुद्धा घालची पडली ! कर्मभोग अशें म्हणून कपलार हात मारून घेवन हांवें गणपतीकडेन पळयलें· गणपती सारखो गणपती जांवन शंभूल्याच्या पोटाक पळोवन तेणे लजेन मान सकयल घातली. सोंड सुद्धां हालयना. जालो ! ' तीन फावटी पोटांत उदक घे. केशवायनमः नारायणायनमः माधवायनमः गोविंदायनमः विष्णवे... ' निमाणी येकदां त्या गणपतीची शंभूल्याकडल्यान पुजा करून घेवपाची वेळ आयली. पोटांत कावळे आनी हुदीर बोंब मारीत आसल्या कारणान पुजा ' रोखडीच ' जाली. प्राणप्रतिष्ठा–आवाहन–आसन–स्नान अर्द– येकाफाटल्यान येक उपचार शंभूल्याच्या हातीत हांव दीयत रावलों. तोंडान मंत्र म्हणत रावलो.

' दाव्या खांदारसून घेवन उजव्यान सोड ' अशें म्हणून जानवें ताच्या हातीत दिलें आणि कोणाच्या खांदावयल्यान सोड हें सांगलें नासल्याकारणान शंभूल्यान तें आपल्याच गळ्यात घातलें आनी आपल्या कुळकुळीत दोंदार सोडलें. हें जेन्ना म्हज्या लक्षात आयलें तेन्ना खूपच उशीर जाल्लो ! पूजा धूपाकडे पाविल्ली. ' धुपाटण्यात कोळशें घालून घडगे !' अशा शब्दांत अेक किळोच रानच्या कुडीत वाटेन पळयत हांवें माल्ली. कारण शंभूल्याच्या उपाशी (!) भुरग्यानी गणपतीची पुजा पळयत भावार्थान वोग्गी बसपाचें सोडून भायर खळयात इतलो हैदोस घातिल्लो की हांव

कितें भटपण करतां तें म्हाकाच आयकूंक येनासले. धुपाटणे म्हणजे नळचातल्यान कोळशे येवपाक वेळ लागलो. भितल्ल्या कुडितल्यान व्हदळच्यान कोणतरी जाणटी पिरंगताली आनी थरथरत लुडबें उलयल्याबशेन आवाज येतालो.

'भितर कोण पिरंगता ?' हांवे शंभूल्याक विचाल्लें.

'आवय ती !'

'कितें जाता ?'

'बरी ना !'

'केन्नाच्यान ?'

'देड वरस जालें !'

'देड वरस ? कितें जाता तिका ?' हांवे विचाल्लें इतल्यान नळकुडेवयल्यान रसरसते कोळशे दवरून शंभूल्याली बायल भितर गेल्ली आनी धुपाची पुडी सोडून तयार आसल्यान शंभूलो उलोवच्या आदीच हांवे सांगलें—

'धूप दाखय ? यत् पुरूषं व्यदधुः कतिधाव्यकल्पयन्न मुखं किम... ' धुपा फाटोफाट आरत पेटयली. उजव्या हातीत आरत आनी दाव्या हातीत घोटी कशी धेवची हें शिकोवन शंभुल्याक परतो गणपतीफुडें उबो केलो. पुण आरत ओवाळंप आनी त्याच वेळार दाव्या हातीतली घांटी वाजवप हें शंभूल्याक अेकदम अशक्यच काम जालें, अेकतर घांटीच वाजू लागली वा आरत भोवडायतना घांटी आपशीच बंद पडू लागली ! घांटी हांवे घेतली पुण नशिबांत जे कितें आसता तेंच जाता हेंच खरे ! कारण परती जोडवें दाखोवपाच्या वेळार शंभुल्यान नेटान आपूण वाजयतो अशें म्हणून घांटी आनी जोडवे दोनूय हातात घेतली आनी ह्या प्रयत्नाक मात्शे फळ येवन दोनूय हात व्यवस्थीत हालपाक लागता म्हणसर नव्या पुडव्यान दावो साधलो. शंभुल्याच्या घसघशीत दोंदार आणिक चडवेळ रावूक नजो जावन तेणे शंभूल्याच्या पांयार घालून घेतलें आनी गणपतीक दिगंबर आरती दाखयता हें तेच्या लक्षात येवपाक बरेच सेकंद गेले. कारण जोडवी ओवाळताना घांटीय आपणाक वाजोवक आयली ह्या आनंदात तो बुडून गेल्लो ! दैवाच्या विचित्र गतीक लागून जांवये पुण त्याचवेळार घांटयेचो आवाज आयकून शंभूल्याली पाच स भुरगी अेकदम गणपतीच्या कुडीत आयलीं आनी आपुण कोणाक हांसता हे लक्षात येयसर भरपूर हांसू आवाज करिनासतना हांव तर हांसतालोंच पुण कसलो बोंवाळ पळोवपाक शंभूल्याचें अर्धांग भायर आयलें आनी 'कर्मा घाता' अश म्हणून पोट धरून तें सुद्धां हांसूक लागले. आनी मंद बु आसली तरी शंभूल्याच्या लक्षात कितें जालां हे 'रोखडेंच' आ आनी तेणे घांटी जोडव्या वांगडा पाटार बसकण माल्ली. शंभूल सारख्या आडमाप पोर या मनशाक लजूक इतलें सोबीत आयलें ते पळोवन हांवें सुद्धा लजेलो ! पूजा जाली ती खूब जाली थारावन हांवे ती रोखडीच आरपिली आनी शंभूल्याक तीन फाव पोटांत उदक घेवपाक लावन भायर सल्लो. खरें म्हणजे इतल फुगिल्ल्या पोटांत आनी कितें घालप हे कर्म म्हाका सोब नासलें.

X X X

पावसांतल्यान भिजत घरा आयलो. पुडव्याक लागिल्ल शेणाचो शितोडो वसरेत पट्टातें पळोवन घरातलीं सगळीजणां हांसल भावोजी निक्तोच आयिल्लो. तेणे विचाल्लें—

'कोणाच्या शंभूल्या नावाच्या गाढवाच्या घरी गे होतास ?'

'होय. का ?'

तुझा काही दोष नाही ! ह्मेस खबर असायास हवी होती. घर आमी सोडलें आहे दक्षणा धड देत नाहीं म्हणून. म्हणूनच त ती पूजा उरली होती.

'असें ? हां.' हांवे मनातल्या मनात कपलार हात माल्लो.

'दक्षणा किती दिलीन ? चार आणे मरे ?' भावजी शंभूल्याचो उद्धार केलो. दक्षणेचे नांव काट्टाच म्हाका चुरव बसलो. कारण हांव दक्षणा मागपाक विसरू नासलो पुण बोंवाळ घेवपाक विसल्लेलो. शंभूलो रोखडीच हाडपा खातीर घरांत गेल्ल तो भायर यवच्यापैलीं हांव सरकलेलो. पुण चड चर्चा नाका म्हणू हांवें सांगलें 'घसघशीत दोन रुपया दिले !' बोल्सांतली म्हजी नोट काडून हांवे दाखयली. तिका कुकमाचो हात लागिल्लो. पु तरी भावोजी संशयान फुतफुतलोच !



्धसागर, अेक सुंदर सैमस्वप्न

— लीना वि. हेदे

कॉलेजात आसतना दुधसागराचेर हायकिंगाक वचपाचो योग आयिल्लो. बाकीबाबाच्या दुधसागर ह्या कवितेतल्यानच का ताची ओढ लागिल्ली. पुण मागीर मुंबयच्या प्रवासात ताचे ुल्ले दर्शन सुखकारक दिसताले. ह्याचे गर्भरूप लागसून पळवपाची उमळशीक मनात लागील्ली. तो योगच फुडे जुळून आयलो तो त आता हाव कशे विसरन ?

हायकिंगाक भायर सरचे पयलीच सरानी आमका शिटकावणी ली, खूप व्हडलो दोंगोर चडचो पडटलो. जवळजवळ अडेच ाची वाट. तीय दोंगरमाथ्यावेल्यान उभारशी वचपी. आमी सगळी जा करूक फूलीली. एक सत लागसून न्याहाळपाची उमेद लागील्ली. चे पयसूल्लेच दर्शन जशे डोळचाच्या शिपल्याक इतले थंडाय गयता तर ताचे सतरूप पळवन तर हाव भारावनच गेले.

आमी सुमार नव धाच्या अदमासाक दुधसागराच्या दोंगराच्या यथ्याकडेन रेल्वेतल्यान देवली आनी आमचो प्रवास सुरू जालो. च्च पाचवे रानात आनमोडी नेटान वाट गेली. पाचव्याच कापडाक वीच कास कशी ती सोबताली. आमी वाट चलूंक लागली.

मनशाक सैमाचे पिशे, सैमाचे सौंदर्य आनी मनशाची दृष्टी हाचे डी घडी मिलन जाता. अशे मिलनोत्सुक डोळचाक हे सैमसुख भरून तना श्वास सुध्दा घुसमटाल्लो. सैमाच्या पोटात कितली तरी टा आसतात. ही गुटा काय मनशाक कळील्ली आसतात तरी काय टा कळील्ली नासतात. मनशाच्या नजरेपलतडी ती लिपील्ली ासतात. आपालिपा करीत ती आमच्या सौंदर्यदृष्टीक सदोदीत ाव्हान दितात. स्विकारूक आमीच सज्ज आसूक जाय. जी गुटा ौंदर्यशिल्पा आमका सापडल्यात ताणी तर आमी तृप्त जाल्यातच ण कळूक ना तांचे किदे ? स्वतः जाय ते Artificially मनीस यार करता पूण निसर्गाचो कुचलो कितलो अप्रतिम व्हय ? कितले हड भव्यशिल्प चितारपाची कुवत ताच्यात आसता व्हय. मनशाच्या ुशाग्र बुद्धीक सैम खुणयता पिसायता.

बरे दृष्टीतल्यान सोदील्ली. सत्य गजाल सुंदर आसता हे ळून आयले. दनपारचो कड सुमार दोनशे कॉलेजातली भुरगी ोंगर चडटाली. हो चडाव चडटना सुरवातीक कितले कळले ना. ुण देडवर सतत दोंगोर चडटकच मागीर भय दिसल्लो जीव नर्शेल्लो. अजूनय कशी पावनात असों प्रस्न आयलो बोटव्यातले उदक सपिल्ले. तानेन जीव वतालो. घुवळ येवन पडटा काय असो ीव ज्ञाल्लो पुण ध्येय एकच गजाल कंठान प्राण हाडून वागताले ते म्हणजे ताचे दर्शन. वाटेर वतना अटंगे रान मदी मदी किरकिरो आवाज फूड एकवरभर उल्ला म्हळचार ल्हान ल्हान पाणवटे लागले. थंयचे उदक इतले शितल की आमी पोशे भरून भरून पिवन फुडली वाट चलूंक लागली. पूण अजून थाव लागनाशिल्लो. आता खऱ्यानीच जीव वताकांय अशें दिसले. मुखदर्शन ना जाल्यार पददर्शन तरी असो ध्यास लागलो. वाटेर वताना तऱ्हेकवार जातीची फूला लागताली. पूण चडवाक लागून काडूंक मेळनाशिल्ली. मेळटा तशी बुद्धीन आमी फुडे वतालो. चिकित्सक नदर फूडेच न्हाहाळताली. हळूच फाटी वळवन पळेत दिसले. घुवळ आयिल्या-भशेन दिसले आनी जमीनीपासून खूप उंच पावल्यात हे कळून आनंदय जालो आनी भयय दिसलो. फाट घामान चिम्ब भिजील्ली. पर्स आनी जोते हातात धरून फूडलो दोंगोर आमी पार केलो. ह्या रानवटान खूप रानवटीय लोक रावतात. अदून मदून तेय दिसताले. हांगा हिंस्त्र श्वापदा रावता आसूये.

वाट चलता चलता अकस्मात आवाज येवंक लागलो. कोणे तरी म्हळे पावली दिसता. कित्याक तर थंडाय भोगताली आनी टवटवसाण सगळचाक पसरिल्ली. पयसूल्यानच इतली थंडाय मागीर लागी कितली आसतली न्हय ? देखून पंदराअेक मिनीटा चलून वतकच कायच दिसले ना. डोळे निर्शेले. हे अशे किदे? मागीर सरान सांगले हांचे व्याप व्हड जल्यान ही थंडाय पयस मेरेन पावता. अजून आमी लागी पावूक वेळ आसतलो. आमी परती निर्शेली. सैम आपले शिल्प दाखवक आमची परीक्षा पळेतालो. आमचे आनी ताचे मदले अंतर तो मुद्दाम बी वाडयना मूं ? इतल्यान आंगार थंडसाण झडची तशी झडूक लागली. मोठचान आवाज येवक लागलो. आनी कोणे तरी म्हळे खऱ्यानीच पावली रे ऽऽ म्हाका अजून थाव लागलो ना. हाव फुडे पळेले आनी पळेतच उल्ले. ह्या भव्यतेचो साक्षीदार म्हुण राव म्हळचार तितली ऐपत म्हज्यान आसत काय अशे हावेच म्हाका विचाल्ले ? एक भव्य दिव्य गजाल मुखार आशिल्ली. भरभरून पळवक मेळटाले. इतल्यात उंच मोलादिक वस्त सैमान लिपोवन दवरील्ली. आमी आता उंच पातळीचेर ताचे दर्शन घेतना हाव लीन जाले सैमाची नवला विशालप्रवृत्तीची आसतात हेच मनशानी शिकपाचे.

सुरवातीक हाचे पात्र म्हळधार एक व्हड राट कशें मोव शितल कशे दिसता. मागीर ते विस्तृत जायत वता आनी विशाल जाता. अशी शेवटी रुद्ररूपान कोसळूक लागता. आनी सगळे शांत शांत जाता. ताची विशालता जय मोव जाताली त्या विशाल पात्ररूपी प्रवाहाभोवतणी नदर मारल्यार निळेतांबडे पाचवे फातर

दिसलें है, अशें कशें ? म्हाका कन्याकुमारीच्या देवीन रेंवेची याद आयली. कन्याकुमारी हुमल धाव, येवन अदल्या दर्याची वाट पळेता. तीं येता हैं, वेळा कळटा तेन्ना तीं नवीच यावन सृष्टी. तीच येव देखा आसा. तीची अवस्था येवन धरल्या अशें आख्यायिका आसा. हुमाय नवीच किसय काय ? एक कावन कुतूहल. एक आकवार किरू मनात पावय माऊक कायसों.

दुसऱ्या भागान अय पात्र विशाळ्ल्य येता येय आसी चकळी समरी. केद अक दीकवाळ भयंकर पात्र ने. मनीस थंय उबो आसल्यार सबगों कसो दिसतालो. सदद दर्शन एकमेकाक दसों वेल्यार आवाज सुमतालो किलकी सुदर ही थंडाय कुडकुडचार्चीच. उमक एकमेकाकडेन किदेत्री उलयताले. एकमेकान मिसळटाले. हांचे पळपळ म्हळ्यार हायच काय निवळ निवळ उदक ताणें पळेल्यार स्पष्ट दिसताले, पुणीय नवीच चकचकीत निकतिकीत. येव्याम है पात्रान आनीकय ययचे ययचे प्रवाह येवन मेळटाले. थंयच्यान ते कळच नासत. एकच प्रवाह जो पळेला तो जर इतलो विशाल तर प्रत्येक प्रवाहाक भेट दिवपाची ताक कितली जाय न्हय ? ताच्या मनन कामळी न थामवी रूप पळवन म्हणों उतराच उतरानहीं थंड थंड नायन गेली. थंयच्या थंडसाणेन अेका मोहीनीरूप घालून म्हाका मोन केलें. पुण हो मोनेळ सौंदर्यान भरील्लो अेक प्रवास आशिल्लो. हाय किदेतरी मनन डोळे भरून पळेताले. ते किदे कळटाले ते काळजान मरमरून रकयताले. पुण खूब वेळान म्हाकाच म्हजें आंग जडसें लागलें. हांगाचो त्यो कपारीच खूप सुंदर गळमुठील कसो.

हाचे जेन्ना मोवाळ मोगाळ दर्शन घडलें तेन्ना जीवाक खरेच सांगता खूप बरें दिसलें. हाचें वगर उतराच ना. होच प्रवाह स्वयंभू जावन आत्मबळगान वेद घेता तेन्ना अभिमान दिसता आनी निमाणो ताचो वाटो म्हळ्यार स्वतंत्र प्रेरणेन क्रांतीकारकाचें रूप घेवन ही आत्मबळीदान करता तेन्ना हाये हळूच हात जोडले. खूप बागट दिसताले पुण जेन जाता है मनान कळटाले. तो कोसळत आसता निरंतर चिरंतन तानी भरणांतर चिरसुंदरता आमका पळेंवल्यान पळेंवक मेळटा तो धांती मेळवपाक सकलय देवता काय स्वर्गातल्यान म्हादेवाच्या जटेतल्यान गंगा अवतरला तशें.

सत्यं शिवम सुंदरम्. सत्य गजाल दैवीगुणाची गजाल तशीच तितलीच सुंदरय गजाल. नगर पावतकच सिद्धार्थावशेन म्हाका जिणेतल्यो सगळ्यो अवस्था याद जाल्यो. हांगाच्या भव्यतेन जीणेची लपणाच भागली. म्हाकाय त्या पात्रातल्यान प्रवाहातीत जावन व्हावीन दिसलें. पराशर हिमाळयात वचून साधना करूंक वतालो पुण बाहेर त्या सत्यवतीक भूल्लो तशेंच हें न्हय मू ? त्या गंगातीरार ती जादू तर ह्या दुधसागरार ही जादू.

पुण म्हज्या मनात हिमाळयात वचून पराशराभशेन साधना करपाचें हाचें पयलीच येवजू नाशिल्लें. ताजें तें येवजून तो वतालो पुण ती इत्सा भगली म्हणजी तर साधनेची इत्सा हांगाच तयार जाली ब्रह्मानंदाची जी सुखा तातूनतलेच हेंच एक सुख काय ? आमच्यो

सौंदर्याचे कल्पना म्हळ्यार प्रणय, ताचें सौंदर्य
विरक्ती तेच एक मध्य जावून हांगा दखें
म्हज्यातच गोंवळून लागील्लें.

दुध चिना संसार आशिल्याक ही चिरल
वाट, देवून भावना मिळवक ब्रह्मचारी येव
येतान जातलें. येमबक्तो म्हज्या आंगान वडावता
म्होंग्यो वृत्ती चंचलेन कडल्यान स्थिर क
अतिशय तृप्त जावन आनी चाराच्या सुनाराक
पाय जडावल्ले. थंयच रावन दिसताले. मन
जाल्ले. दुधसागर हें म्हाका त्या दिसा पडिलें
स्वप्न. अेक मन स्वप्न. सकलय येवन आनी
लागली. बरा परतुराक मन आता मात गंभीर
कमली तरी ओढ लागील्ली, रुखरुख मनाक
किदेतरी मेळील्लें तरी पुण अेक किदेतरी डोळ्या



'कुळागर' कोंकणी कथा-स्पर्धा

- हे स्पर्धेखातीर कोंकणी भाशेंतल्यान देव
बरयिल्ली कथा धाडची.
- कथा स्वतंत्र आसची.
- कथेची लांबाय दोन हजार उतरांपरस चड
- कथा कागदाचे एकेच वटेन रुन्द मार्जीन सो
- कथा धाडटना ' कोंकणी कथा–स्पर्धेखातीर
टाचेर बरोवचे.
- पयलें बक्षीस रु. १५०/–, दुसरें रु. १००/
रु. ७५/–.
- कथा ३१ ऑगस्ट १९८५ मेरेन संपादक,
पो. बॉ. क्र. ७८, मडगांव–गोवा–४०३ ६०१
पावोवची.
- बक्षिसा मेळयिल्ल्यो कथा ' कुळागर 'च्या दि
उजवाडायतले.
- हेर वेंचिक कथा जागो मेळटा तश्यो 'कुळ
उजवाडायतले.

ा जीण

महाबळेश्वर दत्ता सैल

सामक्की मासाळ. सोपूत घेवन सांगता, म्हज्यात
ा, हांव वांज न्ही ! आयज हांव अशी पडिग पडला
वचिन्नपणाक लागून. धाबारा वर्सांफाटी हांव बरी
ी, आंगोपांगार थामाचो कोंब उर्बेन वाडयताली
डहातबर कणस घेवन धोलताली, ती आयजच
डचो ! अजूनय म्हजेर कोणे घाम सांडलार
टबर उदकान मूठबर दाणे दीन अशी उर्बा म्हज्या
ात भल्ल्या. गुणो बावडो सद्दा म्हण, म्हजी ही
यार भांगरा कुडको. अपूरबाय करता तितलीं

स मनशाल्या सुवार्तान म्हाका स्राप मेळलो. आनी
ावन गेली. आयज अहिल्लेवरी शिळा जावन हांव
ातरी कुदळ मारपी रामाची वाट पळैत.

साळ आंगार जायती अनिश्टा किल्लल्यात,
ार, मुगळ, माड्डो, पुड्डो हातून हांव घुस्पुन
को घुसमटमार चल्ला. ह्या वर्सांनी म्हजेर एक
ला,– लजे व्होंकलेची. राणग्याचे नांव मात
किततो पाडी जाणा, वचत थंय भश्टाकार !
ाले घेवन धायवटांनी पसरत वता. गोरू लेगीत
ा.

म्हजो मूळ धनी रघुपती शणै. पुण शणैल्या घामाचो एक थेंबो लेगीत म्हजेर केन्ना सांडलो ना. ताज्या धव्याफुल्ल पुडव्यार म्हज्या मातयेचो एक टिबो केन्ना लागलो ना. पुण पिकावळ जाली की तो खळार येतालो. मुखार हातात पायली घेवन शणै आनी ताज्या फाटल्यान साक घेवन ताजो वावराडी. शणै पुडवे म्हेळ जावचे न्ही म्हण तणाची पेंड घेवन मेरेर बसतालो. वावराडी भात मेजतालो. मापूर, मेजून सामक्की आर्दी पीकावळ शणै आपुण घेतालो, अर्दी गुण्याक. तातून एक आसो उणो जावक जायनाशिल्लो. मनशाल्या ह्या व्यवहाराचे म्हाका अजाबच दिस. घोळटा कोण, दणदणे काड्टा कोण आनी आयते खाता कोण ! कित्याक शणै फक्कत म्हज्या कुंकमा तिळचाचो आधार म्हण ! म्हाका म्हजीच लाज दिस !

म्हज्या उगडासाप्रमाण गुणो तीस वर्सांतरी म्हाका वसयतालो, पिकयतालो. यद्दोसो भुरगो आसताना बोटबर कास्टी लावन तो शेतात येतालो तेन्नाच्यान ताजी आनी म्हजी इस्टागत. गुणो भोव मायेस्त मनीस. कामाकय वाग. इबुण्णीपासून लुवतामेरेन सगळे काम जुस्ताजुस्त. मेरो धरतालो ते सामक्के सूत धरून कांडयिल्लेवरी. कसताना नांगर सामक्को उबो घालप आनी मुंडळेमाती वयर काडप. बैल बावडे नांगर वोड्टाना खर्शेताले. गुण्याची बायल लीलाय तशेच. त्याच घोवाली बायल ती. नण्णी काडलार शेतात एक तणाचो कण हुरनाशिल्लो. कामधंद्यात सामके शिटूक !

इतले आसुनय तांच्या आंगार हावें केन्ना नवे सूत चयले ना. सद्दा आंगार दळिद्दिरी जुनेर आनी बोंनरा न्हेसून म्हज्या कामात गुंथिली.

गुण्याचे निकतेच लग्न जाल्ले तेन्ना तांचे मोगा खबऱ्यो आयकोन तांचो मोग पळोवन जायते फावट म्हज्या आंगार रसरसून कळे फुलल्यात–

‘ लीला तू चड ओणोव घेवन खणू नाका. तुगेल्या दोनय पारकाचे काळे चोची दिश्टी पडटात.’

‘ पडू दी हांगा कोण आसा पळोवक.’

‘ हांव ना.’

‘ तुजेच न्हय तर सगळे तुजे तू पळय ना तर दोळे धांप.’

‘ लीला एक सांग, तू तसे काळेसावळेच पुण तुगेले मांडयो गोरे पिट्ट कशे ?’

‘ तुवे केन्ना पचयले तर ?’

‘ ते पळय मुगो, कितले वयर पर्यंत दिस्टी पडटात.’

लीलान बेगीबेगीन साडयेचो कवळून घेतिल्लो सोगो सखयल सोडलो. चाळयत ताणे म्हळे, ‘ सामको ल्हेवटो तू.’

‘ बाप्पा विटयता न्हू गो. रातबर खोखत रावता. जाय तशे जायीच ना.’

‘ आनी किते जाय तर तुका.’

‘ ए दनपरा आमी गोटयाम्हाळयार या.’

‘ नाका, म्हाळावेल्या तणात म्हज्या आंगाक मिचमिचे पडटात.’

फुल्ट गुरवाचारा खेपेक लीलाची म्हाका निडकच मारिल्ली. गव म्हैन्याचे पोट घेवन ते शेतात वावराक येताले. वेल्यान म्हणप, कामधाम केलार जीव सडसडीत उरता.

गुणो आनी लीला म्हाका वसयताली तेन्ना म्हजो किते थाट आशिल्लो म्हणून सांगू. म्हजे कितले कौतुक जाताले, कितली बरी मयागत जाताली. तेन्ना म्हजो राणयेचो थाट आनी कळवंताचे नखरे आशिल्ले. एकेक मेर कितली सोबीत ! माती सगळी समतळ, एक फोणकुल लेगित पडनाशिल्ले. सारे किते खाता, सामको चकचकात. शेत सगळे शुद्ध नितळ. थामात एक तणाचो आसो हुरनाशिल्लो. पुने आयज पळेलार सगळो भश्टाकार. नानातरेच्या अपप्रणाची म्हजेर हावळ आयला. गांवचेडियेची जोण हाव मागता, कोणेय कसलेय वींय म्हजेर किल्लोवक घालचे, आनी हावे ते इच्छेभायर म्हज्या देहार वाडोवचे. आयज म्हजी अशी अवस्था कित्याक जाली, कशी जाली हाजी एक कर्मकाणी आसा…

गुण्यान गांठीक चार दुडू बांवतकीर तो एक दीस शणैक वचून मेळ्ळो.

‘ शणै, इतली वर्सां तुज्या शेतात घोळ्ळो, हाडा झरयली, रक्त आटयले. तुजोय वाटो तुका एकीनेन दिलो पुण असो घणसा बैल जावन कितलो तेप रावचे. म्हजोय एक शेता कुडको आसचो असे दिसना. तुजी शीर म्हाका विकत दिशी ?’

‘ पुण मोल फारीग करपा जायत म…’

‘ कितलेसे दिवचे पड्टले ? हांव तु…

नाका.’

‘ चार हजार फारीग करचे पड्टले.

‘ चड जाले नात ?’

‘ जमीन पीकेक बरी. कामाकय ज न्ही. …

कुशीक. फाटीपुड्या कसलोय ल्हानव्हड का…नो …

पाचपट मोल येवक येता.’

‘ पुण शणै, म्हजेकडेन सद्या तीन हजार …

एकदोन पिकेक हुरिल्ले एक हजार फारीग …न.

‘ बरे आसा. जमीन तुका विकली म… समज…

हजार पावतकीर खरेदीपत्र करचें.’

गुण्यान शणैल्या उतराक पातेवन का… गवाय, …

नासताना तीन हजार रुपये चिपयो कसे …ज्या …

आता आपल्या हक्काच्या शीरेत ग… आनी …

उमेदीन कामाक लागली.

पुण हुरिल्ले एक हजार रुपये ह्या … त्या …

वर्स न्हय तर पांच वर्सां दिवक जमले नात. …दी जाय …

आयली. बापूय शीक पडलो आनी तातून त… गेलो. …

एक असै दोन बैल वागान खायले. भुरगं जाली …

व्याप वाडलो. एका गाठीन एक हजार रु… जमा…

ंडच आशिल्लो. खंडय मागनाशिल्लो.
शणै एका गिरणेकारावांगडा येवन अचकित मेरेर
ं सांगतालो,
पळय रस्तो लागुनच आसा. भोंवतणीच्या वाठारात
भाताक आनी नाल्लाक हिंगा दुकळ ना. भाताची
रण घाल्यार बेस बरी चलतली.'
ेर उबे राविल्लेकडेन मोल लेगीत थाल्ले. गिरणकार
ा हजार रुपये दिवक तयार जालो.
तिसऱ्याकच विकूक उठला म्हण कळटकीर
हुडलो. तो उठाउठीच शणैगेर गेलो.
यकता ते खरे ?'
'
घेवची केल्ली न्हय. तीन हजार लेगीत प.वलात

ायज पाच वर्सा खंय आशिल्लो तू ? तीन हजार
ी आसा तुजेकडेन? '
ाका असो नाडू नाका.'
ाच वर्साचो खंड दिला तुवे ?'
च मागलो ना. शिवाय अर्दावियर पैसे पाविल्ले.'
खंडातच बादाबाद जाले. शिवाय खंड दिलो ना
तुजे नावय रिकार्डावेल्यान चुकयला हावे. '
माल्लो तुवे म्हजो ! इतली वर्सां त्या शीरेत हांवे
आनी आयज तुवे ती जमीन म्हाका चुकयलो.
ाळांची रोजी काडून घेयली, ताका पेजेनीसय

प विनयले. तो रडलो, फडफडलो. पुण शणै काय–
ार नाशिल्लो.
ा शेतकाराचे सर्वस्वच हातातल्यान वता म्हण
केन्ना ना तो रागान झडपलो. ' ना, शणै हांव
शी फुकाफुकी हातासून दिवचो ना. हाव त्या
भायर काडचो ना. फोर्सान रोयतलो. मेलो तरी
कसोच सोडचो ना. '
बेठीच अडांगोपणा करू नाका. फाल्या प्रकरण
जेकडेन कसलोच पुरावो ना. तू मागशीच जाल्यार
हजार हाव पर्थे करता. '
ैसे नाकात. म्हाका म्हजें शेत जाय. '
रुय वगडावन बसतलो. '
!' गुणो पर्थी फिल्लो. ताणी सडसडीत पावलां

आयक गुण्या, बेठोच कोर्ट खेळच्या भानगडीत

टी वळोन लेगीत चयले ना.

खऱ्यानीच गुण्यान शेत कसले. बरी कामशी केली आनी रोयले. म्हाकाय भोव बरे दिसले. म्हज्या हड्डयार येवन गिरण बसता म्हण कळटकीर म्हजो आवरो हुडिल्लो. आंगार थामाचो कोंब वाडोवक, कणत्राचो चवर धोलवक एक आगळोच आनंद आसता. खळावेले भाताच्यो राशी पळोवन हावय खोशयेन मुरगुट्टा.

पुण शणै कोर्टात गेलो. ताणे सुपान दुडू मोडले. बरो वकील दिलो. दुडवाच्या बळग्यार खोटया साक्षिदारांची दावण बांदली. ताणें सांगले गेल्ली वीस वर्सां आमी गुण्याक त्या शेतात पळोवकच ना. जाले, केस गुण्याच्या विरुद्ध गेली. गुणो पयल्याच धपक्याक विर्विरलो. ताणे शणैल्या बळग्यामुखार धोपरां माल्ली.

एक दीस शणैन पोलीसाच्या संरक्षणाखाला गुण्यान रोविल्ले शेत लुवन व्हेले. पोलीस मेरेर उबे रावले आनी शणैल्या कामदारान अेक आसो दवरिनासताना शेत लुवले. पळोवन काय लोक गुण्याल्या पाडच्या नशीबार चुरचुरले. काय लोक शणैक तोखेयत म्हणूक लागले– बामणाली बुद्द तो, कुळवाड्याक लागता !

म्हाका दिसताले, गुण्यान कोयती, कुराड घेवन शेतात येवचे आनी शेत लुवतल्याचे मुडदे पडचे. ताणे शेतकाराल्या दंडाचे बळगे दाकोवचे. पुण हाव जाण अशिल्ले गुणो इतलो अविचारी न्हय. पुण ताणे भलतीच अविचार आनी अवचिन्नपणा केली आनी म्हजेर सासणाचे अपशरण हाडैले. हे अपशरण पुरायेन ताणेच हाडैलें अशे म्हण नजं. पुण तो नावाक पडलो हे मात खरे...

एक दीस सांजच्या उसरा गुणो शेतात देवलो. शेतबर भोवलो. [illegible] घेवन ताणी ती हुंगली. मगेर तो अेका मेरेर बसलो. [illegible]रर बसून तो खूब रडलो, हुंडक्यार हुंडके दीत तो रडलो. ल्हवल्हव तो रडचो थांबलो आनी वोगी बसून रावलो.

हळुहळू अेक नश्टी शक्त गुण्यात रिगली आनी ताजी शिरंतरा घट जाली. दोळ्यात रगताचो दरया देवन आयलो. काळखात तो मेरेवेल्यान उठलो आनी हात हेळयत स्राप दिल्लेवरी म्हणूक लागलो 'हांव सोडचो ना ! शर्णैक आनी जमीन घेतल्याक. दोगाकय व्हरून मसणटीर जाळटलो ! ताजे निसंतान करतलो ! घट्टण धुंवयतलो !'

थंयसान तो बद्द जानूघाडचागेर गेलो.

दुसऱ्या दिसा दनपरा रखरखत्या वोता— कडार गुणो अेक खोटलो माथ्यार घेवन आयलो. फाटल्यान बायल आनी तिगां भुरगीं. भुरगीं आता ल्हान नाशिल्लीं. व्हडल्या चेडवाक तर निकतीच मिशा फुटिल्लीं.

गुण्यान खोटलो सखयल दवल्लो तो शेताच्या सामके मदीं सूर्याक फाटकन्न पश्चिम दिकेक तोंड करून उबो रावलो. खोटल्यात घालून हाडिल्लो बिच्चबर शेंकराचो तांबडो कोंबो, तांबडीं दसणी फुलां, तांबडचो मिरसांगो, तांबडें न्हेसयिल्लें एक बावलें भायर काडलें.

गुण्यान कोंबो फोण काडून जमनीत जितो पुल्लो. फक्कत ताजें बोडूक आनि शेंकर दिश्टी पट्टाले. ताज्या फुडें बावलें उबें करून शिंगा दसणी फुलां आनि मिरसांगो रचल्यो. भोवतणी शेंदुर उडौन माती तांबडी केली. उपरांत एक लिंबू घेवन ताका तीन सुयों तोपल्यो. तो लिंबू ताणे कोंबो आनी बावल्याभोंवतणी हुंवाळलो. तो हातात घेवन ताणें अवसर आयिल्लेवरी व्हडव्हडान गाराणें घालें, 'थळावेल्या देवचारा, नासा, पायका, बर्म्या, बेताळा, म्हाका नागयलो, म्हाका फटयलो; पेजेनिसाक वळवळयलो; तांचें बरें जाव नाका, बरकत येव दिव नाका. तांचें घरदार वसव नाका. बायल भुरग्यांसैत ते रसातळाक पाव दी.'

फाटल्यान भुरगीं आनी बायल 'हय देवा, हय देवा' म्हणत ताका पालोव आनी पाठबळ दिताली. लिलान तर एक फावट ओणोव घालून जमनीचेर हात मारून स्राप दिल्लेवरी 'हय देवा' म्हळें.

म्हाका तिडकच मारिल्ली. म्हज्या मातयेचो कणानकण फुलून येव दी म्हणजे मरसर वावुरतालो तांचें हे पाडें कर्तुब, नश्टचर्य पळोवन म्हाका भोव खंत भोगली.

उपरांत गुण्यान हिळचान कोंब्याची तकली काप[illegible] रगत ताणें शेतबर वारयलें. मगेर तो ते सगळें तसेच स[illegible] फिल्लो. फाटी वळोन पळेनासताना तो बद्द घरा आय[illegible] तकलेवेल्यान कांबरून घेवन न्हिदलो.

हां हां म्हण्टा गुण्याल्या देवस्पणाची खबर गावबर[illegible] आयकोन शर्णै तिडकलो, आनी कांचवेलोय. गिरणकार[illegible] भिवन गुळी. पुण शर्णैन ताका धीटधिटाय दिली. म्हळें, [illegible] बीर म्हण्टा ती तड्फकाणा. कावळ्यान „गोरू मर म्ह[illegible] मरता ?'

शर्णैन आपलो व्यवहार पुरो केलोच. म्हजेर [illegible] गिरणकाराल्या नावाचो कुकमातिळो लागलो. पुण लोक म्ह[illegible] म्हज्या कुशीतल्यान वेतना काचवेताले. आपसात भ[illegible] फुतफुतताले.

मदी दोनतीन म्हैने गेले. अेक दीस गिरणकार [illegible] फातर लावक आयलो. वांगडा शर्णै आनी हेर काय लोक [illegible] गिरणकार हो मोटो, मोटवो, गूणकुळोच मनीस आशिल्लो[illegible] धोलार येद्द्व्हडले बोमले फोणकूल पडिल्ले. सादी चाट म[illegible] तो खर्शेतालो. भटान मंत्रा म्हणून पूजा केल्या उपरांत [illegible] मारून फातर उखलून फोणात दवरताना ताका खरस [illegible] कोणेतरी म्हणिल्ले, 'ताका कुरेसांवाचे असा.'

जुस्त आठ दिसान अेक दीस दनपरा गिरणकारान[illegible] पेटयली. झुरको मारताना ताका खाक माल्ली. खाकताखा[illegible] तोंड वाकडें केलें. हृदुचार व्हरुक उखलिल्लो हात अर्दा[illegible] तो तसोच धरतरेर उमथो पडलो. थंयसरच ताजो जीव गे[illegible]

गावचो दर एकलो म्हणूक लागलो. गुण्याले देवस्प[illegible] काराक बाधलें.

त्या दिसाच्यान म्हजी दैना सुरू जाली. गेल्ली [illegible] हे नश्ते, भश्ते जीवित हाव भोगता. जेन्ना पयल्या पाव[illegible] नांगरिल्ले, कामशी केल्ले व्हकल कशे शेत नवो कोंब[illegible] उर्बेन रावता तेन्ना हांव मान सखयल घालून म्हज्या नशीबार रड्टा ! कोण केन्ना म्हजो उद्धार करतलो म्हजेर पर्थी कुदळ मारतलो ! गुणो तर म्हजेकडेन म[illegible] करून लगित पळेना ! गिरणकार मेल्ल्याचें म्हाका दुक्क गुणो पैसावल्याचें दुक्क हाव चड भोगता. ▣

...डूं

– माया शेल्डेंकार

ना, गॅसार दुध दवरलां. मात्से पळे हां, ' हां वैनी
आसां.'

, बाय मात्से न्हावपा उदक काड मगो, हांगा आट
बस चुकतलीच आज म्हाका.'

, काल मेय उमळपा दिल्ले ते खंय दवरल्यात ? भायर
आयलो हांव.' मीनाची सकाळ ही अशी जाताली.
ोणांत ताजे नाव. मीना हें कर, मीना तें कर. ताजे
डी तांची कामा जायनात.

वासुबाबाल्या घरांतले चेडूं, पुण ताका चेडुं, म्हुण
च ना. ते प्रत्येकाचो उजवो हात. घरांतली सगली
कामा ताकाच खबर. वैनीक तर ताज्याशिवाय
ना.

मीना वयान केदें ? फक्त बारा वर्सांचे. ते तीन
नाच ताची आवय-शेंवतु मेलें. शेंवतु लग्न जावचे
वासुबाबागेर वावर करी. वासुबाबाल्या आवयन ताका
नायाकडेन लग्न केल्ले. हेतु हो तें लग्न जावन पैंस
ुसरे चेडूं सोदचे पडनये. मोटी बुदवंत आशिल्ली

ी पोन्नी आयदनां आनी सुनेल्यो पोन्न्यो साड्यो दिवन
नवो संसार उबो केलो. शेंवतुय खाल्या अन्नाक जागपी.
ेपणाकडेन आडनदर करून काकीबायच्या आदारान
.

ा तीन वर्सांनी शेंवतु गुरबार जालें. काकीबायन हो
ो. पुण वैनीन शेंवतुक कांयच अुणें केले ना. मांयच्या
नर चडच म्हळचार जाता. आपल्या भुरग्यांची
आनी पोळे–फाळे दिवन तिणे शेंवतुचो बांळटेर

शेंवतुच्या बांळटेराक ताची पैसुल्ली एक भयण आयिल्ली. पुण शेंवतुक मात आदार दिसतालो. तो वैनीचो. ताजी भैण नवीच शारांत पाविल्ली. शाराच्या रूपाक भुल्लुशिल्ली. भयणीच्या बांळटेराक आयिल्याचे विसरून आपलें तोखणायेत आसताली. ती दोन भुरग्यांची आवय आसून लेगीत नव्या शेंवतुक चलयेचे सगळे करूंक शिकयले तें वैनीन.

शेंवतुक कसलो भास जाल्लो काय भविष्य कोणें कानात सांगिल्लें कोण जाणा. बारशादिसा शेंवतुन एक पिशेपणा– हय पिशेपणाच वैनीच्या नदरेन केल्ली. चलयेच्या बारशाची सगळी तयारी वैनीन केल्ली. शेजारच्या चार–पांच बायलांक आपयली.

वैनीन पैलीं भयणीकडल्यान शेंवतुची व्होंटी भरून घेतली. आपणें भरली आनी आता चलयेक पाळण्यात घालतली इतल्यांत शेंवतुन म्हळें– ' वैनी, मात्सी राव. पयली पाटार बस–'

वैनी अजापली.–' हांव शे बाये पाटार कित्याक बसूं ? आज बसपाचें काम तुजें.'

शेंवतुन म्हळें– ' वैनी, म्हाजी एक आंगवण आसा. ती पैलुन म्हाका करूं दी. मागीर तुमी चेडवाक पाळण्यात घालात.'– अशें म्हणुन शेंवतुन चेडवाक काडून वैनीच्या व्होंटयेन घालें. तिका पायां पडून सांगले– ' वैनी, म्हाजें पैले चेडूं आयज हांव तुका दितां. तेजी जबाबदारी तुजेर. तेजे नाव बीन तूच दवर तुका जायें ते.'

वैनी हांसू लागली आनी म्हणूं लागली–व्वा शेंवतु, तुवें म्हजे व्होंटयेत घालुना जाल्यार किते म्हजेर जबाबदारी नासतली आसली ?–'

वैनीन चलयेचे नाव दवरले मीना. मीनाचो बारसो वैनीन सोबयलो. पुण मीनाचो बापूय हातुंत कित्यातूच नासलो. चलयेक जन्म दिलो आनी आपलें काम सोंपले अशेंच तो समजल्लो. तो सोरो पितालो त्या दिसा घरात येना आशिल्लो. भायले भायर रावतालो. शेंवतुक केन्ना पैशांखातीर मारय नाशिल्लो.

मीना व्हाल जें दिसताले शेंवतु ताका दकतालेय [illegible]. हयन्हयलें चोरें मीना पिटाच्या वाक्या कपड्यांत दुडू कोंडींत दिसतालें. तें वडलें वैनींकच आवडाले. वैनींली तुपांत ताका हिडीस-फिडीस करताशिल्ली.

मीनाचें दिसपें वाढदिस आयलें दिस आयलाक दिदीन.– वैनींच्या व्हडले चल्यांन श्यामलें शेंवतून किर्तेय ताका म्हणू ताचो वाढदिस सतवर. शेंवतून पयलेंच वाढदिसाक आशिल्ले– 'दिदीबाय, आयज केलो तो जालो. हेजें दुडें वाढदिसांक आनका नाका हां. तें दुसों तुमचें करचें–' तें प्रमाणें दुसरो वाढदिस केलो ना. अडु तान दिदीन धगायलें, वाढदिस करप दिदींचो खरो हेतु वेगळोच आशिल्लो. पयलेन ताका कायच कॅमेरो हाडून दिल्लो. 'ताजे उद्घाटन करूं आय किलेवरी निर्मीतान फोटो काढपाक चड मना.'

दिदीच्या मनान एकदा आयलें काय जालें. मगीर कोणेंय किर्तेय म्हणू, तें आयकुचीं न्हूं. ताणें मनोवाक तयार केलो. आनी घरांतल्या-घरांतच ताणीं वाढदिस केलो. जेवणाचेर केल्लो तो फोटो मात खूब चेतले.

शेंवतुच्या मनांत आयलें– 'किनले भाग्याचें म्हाजें चेडूं, आमच्यासारक्या गरीबाक कोणें सामिल्लें हे वाढदिस आनी फोटू. हें पळोवपा मेळता तीं थोडी पुण्याय न्हू म्हाजी.'

दुसऱ्या दिसा सकाळीं तें सदचेवरी कांनुक बशिल्ले. आदोळी उगडीच खापून ते दुसरो नाल्ल हाडूक म्हूण उठले. येतना निकल्यांच उडयिल्या पोपायेच्या बीयांचेर ताजो पाय निसरून तें नाल्या पडलें. तिख्याची आदोळी. ताकच कापून उरलेना तर काडने दोळ्यांत भरलें.

शेंवतुच्या किळांचेन वाळूक सकल काडिल्ले तपले आपटून वैनी धांवली. रक्तबंबाळ शेंवतूक पळोवन तिका बुवळ आयिल्यावरी जाले. पुण ती मोटी धीराची. सकाळचो वेळ घरांत कोणूच नाशिल्लो. वैनीन शेजाऱ्यांच्या आदारान ताका आस्पीतलांत व्हेलें. ताका वाचोवचेलो ताणी खूब यत्न केलो. पुण यश आयलेना. निमाणें तिनच उतरां ते उलयलें– 'वैनी... चेडू .. तूं ...' आनी कांयच उलोवंक तें पावलेना. दोन वरा भितर सगळें थंड.

ताजो थोव बापुबावाल्या कामाक लागून शेजारच्या गावांत गेल्लो. ताका खबर कळनाफुडें तो धांवट आयलो. मीनाक वेंगात घेवन हुंवेल्यानी रडपाक लागलो. ताजो हो विकळाप पळोवन जमिल्ली म्हणपा लागली '— बेवडो जाल्यार किर्ते जाले बायले मुरस्यांचेर किनलो मोग पळे–' ' लोकांची उतरां तोंणातुच उरली. ताणे रोखडेच आपले रूप प्रगटायलें.

बाटली घेवन तो आजवेर केन्नाच घरांत येना आशिल्लो. पुण आज तो घरांत बसून पिवक लागलो. दुखान पिसावला म्हणून कोणेच कांय म्हणलेना. ताका मागीर ती संवयच जाली. बाबड्या मीनाक आवय सोदल्यार मेळना म्हूण बापाय म्हऱ्यांत आयल्यार मार खावचो पडतालो.

शेंवतुच्या [illegible] वेळार [illegible] शेंवत्या मीनाक म्हणून म्हणताना [illegible] दिस दवरली ? मीनाक आवयजीन [illegible] अशान एवडेच आपिल्याखातीर कर [illegible] पोटांत तीं घेली.

[illegible] तें वैनींचेर [illegible] ताका वरा वाढटाली. [illegible] आनकांत वाडत वचलें. [illegible] ना, आपुण वैनींचेर पडता म्हूण [illegible] वाचेंन्य वेना म्हणतात. [illegible] पोटाक तर पुरतेंच दिसपाचें [illegible]

शेंवतु मरून दोन म्हयने [illegible] बापूय एका बायलेक घेवन आयलो. [illegible] घेवन ताणें वैनीक सांगलें– 'वैनी, [illegible] हाडली. तूं म्हूण किनले दिस पराक घेता ! [illegible]

वैनी खादोलली– 'बरें जालें. [illegible] म्हाका दिसिल्ले योग्यानुसार तूं म्हूण [illegible] मीनाक, पुण तुजेंय नक्की आपुलीं नाजो [illegible]

' – ना, वैनी केनार तशेंच नहीं, [illegible] म्हाजी. तेका आनी कोण ना, मीनाक [illegible] मेळटले. हांगा–' इतलें सांगून तो वैनी-वेंग [illegible]

पंद्रा वावीस दिस बरे गेले. केन [illegible] गोड-गोड उलोवन ताणें वैनीकच [illegible] पांथरून म्हूण किनले दिस रावक [illegible] म्हयनो भर कसो बसो ताणें बुरखो [illegible] आपली नाखटां भायर काडपाक [illegible] म्हूण हाडिल्लें केमर ताज्या बापावक [illegible]

बापूय पयलींच मीनाक पळेनुसा [illegible] पमून तर ताणे सामकीच वासपूस [illegible] घोवाकच म्हणचें पडले, कारण [illegible] बायलेवरीच वागताली - जोशिल्लो [illegible] काम हाजे शिवाय तिसरेकडेन तो [illegible] तीन–साडेतीन वर्सांचे मीना, ताजी [illegible] चड न्हाणोवप, धुणोवप ना. वेळ र [illegible] वैनी लागी म्हूण खावपा-दिवपा दिनाली. [illegible] किते जातले आशिल्ले सांगू नज.

शेंवतु आसतना पांचा बोटाचे थाप [illegible] सुद्धा केन्ना खाली ना ते मीनाक कारणा [illegible] खावचो पडटलो. बापायकडेन सांगूक [illegible] मायेचो हात फिरयताली ती वैनी. [illegible] आनी समीराकडल्यान आवयवरीच [illegible] चली अशे वागयले ना.

...बाळुन कितलो वेळ सांबाळटली. ते केंसरा ...नी ताज्या हातचो प्रसाद खाल्या बगर ...ोंपनाल्लो.

...नाच्या कट्टेतलो त्रास चुकनाशिल्लो. वाडत ... जालो. मीनाचो बापूय सोऱ्यान कल्ल जाल्लो. ...तो ...वनाशिल्लो. तें ताजेकडेन सदांच झगडताले ...चेर काडटाले.

... नवो धनी मेळ्ळो. बरो जोडकार. केंसर ... मीना केंसराच्या जाचान घरांतली बरीच ... आता सगळो भार ताजेर पडलो.

...रीक बारीक कामात आधार करतालें. ते ... वेळ वैंनीगेर रावताले. ताका बापायमुखार ...तचे न्हिदपा वचप म्हळ्यारसुद्धा ताका ...ो ताजो बापूय चड भयांकृत आसतालो. ...ठयान उलोवप आनी गाळी घालप केन्नाय ... हे चालूच आसताले. म्हुण पोर बापायक

...बापायक सामको काबार केलो. ताज्यान ...ल्ली. घरांत पडून रावतालो. वासुबाबान ...डत-पडत बारांत वतालो. असोच सोऱ्याच्या ...का पोंदा पडलो आनी जागच्या जाग्यार

... आता मीना खरे खरे पोरके जाले. पुण ...विष्याचो वेध लागिल्ल्या ताज्या आवयन ... घाल्ले.

...न वैंनीन ताका सामकेच आपल्यागेर रावपा ... उरिल्ले पयली किते ? केंसरान व्हरून ... सोऱ्याक फुकिल्ले.

... खाटे पोंदा तें न्हिदताले. थंयच ताजो पोन्नो ...जी नवी जीण सुरू जाली. ताका नवीन ...क बरे हुशार आशिल्ले. शाळेंतसून आयल्या ...न दवरतालें. आनी वैंनीच्या हाताखाला ...करतालें. कामाक लागून ताणे केन्ना अभ्यास ...साक लागून केन्ना कामाक आळसाय केली ...स जाताले. आनी वासुबाबाकडल्यान इनामा

...य घरभर जाताली पुण ते शेफारले ना. ...ली ती वैंनीकडेन. आपल्यो सगळ्यो गजाली ... वैंनीय आयकुन घेताली. केन्ना-केन्नाय ...तगुज चलताले. वैंनी आनी दिदो ताजो ...तसो ताका आवडतालो. पुण तो ताका ... नावा दवरतालो,–हां च्युईंगमा, चॉकलेटी ...नीक लिपोवन चिंचेबोटी हाडून दितालो.

चिंचेबोटी, आंवाळे खाल्ले वैंनीक आवडनात. ती थंडी जातली म्हणटा. पुण काय बरे लागतात ते मीनाक ताजो सामको घोस्त. समीरांची पुस्तकां सारखी दवर, बुट पुसून पॉलिश करून दवर, हाजे बदला ताका तो चिंचेबोटी, आमली हाडून दितालो. मीनान लाकडाकुडींत आपलो एक जागो केल्लो थंय ते लिपोवन दवरताले. आनी न्हाणयेंक उजो घालचे निमतान वचून चोरून खातालें.

मीना त्या घरांतलेंच एक जावन वावुरताले. त्या घरात तर ताका केन्नाच वेगळे मानले ना. ते आता आपली आदली जीण विसरल्या वरी जाल्ले. ते आवयची केन्नाय याद काडी पुण बापायचे चुकुन सुद्धा नाव घेना आशिल्ले.

वैंनी खंयी वचूं, येंव मीनाक बारायनाशिल्ली. ताका व्हरतालीच. पुण आज वैंनीन नेम मोडिल्लो. ताका आनी समीराक घरांत दवरून वैंनी, पप्पा आनी दिदी खंय तरी गेल्यात. ह्या दिसानी ती कुचकुचु करून किते तरी उलयताली. राजाकाकाच्यो फावटी वाडिल्ल्यो, तें भायर आसल्यार– ‘ बाय मीना, मात्से भितर वच. जाण्टयाल्यो गजाली आयकुच्यो न्हय ’ म्हणून धाडटाली. अशें आजवेर केन्नाच घडू नाशिल्ले. मीनाक अजाप दिसचे.

आज वैंनी वतकीर सपणार बसून ते हेंच चिंतताले. ‘ समीर म्हुण माकड, धांवलो खेळपाक, म्हाका एकट्याक हांगा वाज येना ?’ अशे चिंतत येदेशे तोण करून तें बशिल्ले.

कितलो वेळ गेलो कळ्ळोचना. दुर्गा मायर एक रिक्षा थांबली, मीना आपल्या तंद्रेंतल्यान जागे जाले. रिक्षांतल्यान वैंनी देंवली, ‘ व्वा वैंनी आयली, दिदी बाय आयले.’ अशें म्हणत, मीना धांवत दुर्गाचो आडो काडपाक गेले.

भितर पावतकीर वैंनीन ताजे फाटीर हात फिरोवन म्हळें, ‘ बायगो, तुजें दिदी चल्ले घोवागेर–’ ‘ किते ? तें रमाल्या ताई भशेन, ना, ना, हांव आमच्या दिदीक धाडपाक ना–’ मीनान आकांतान सांगले.

वैंनी हांसली. म्हणू लागली– ‘ मीना, पिशा अशे म्हणनात. दिदीचे लग्न करप. तुका भावजी हाडटलीं. नवो व्हिस्तीद शिंवतली, लाडू खांवक मेळतले.’–

– ‘ पुण वैंनी दिदी आमकां सोडून वतले न्ही, रमाले ताई पळे परत येयचना. मागीर आमकां दिदी खंयचे ? म्हाका व्हिस्तीद-बिस्तीद कांय नाका. म्हाका दिदी जाय ’– मीना रडपाक लागलें. वैंनीचेय दोळे भरून आयले. ताका समजावचेल्या निमीतान ती आपल्या मनाक समजायताली.

दिदीच्या लग्नाची तयारी सुरू जाली. मीनाचे काम आनी बोवाळ वाडलो. पुण ताजे तोण मात बाविल्ले. ते चडशें दिदी बरोबरच रावताले. तरी वैंनीन ताका सांगिल्ले. दिदीच्या घोवाचे घर ह्याच गावांत. ताका ती मदी-मदी तागेर रांवक धाडटली. हें येवजून तें आपली दुका परतिताले.

दिर्दीक कपडे हाडूंक गेल्ली तेन्ना ताकाय सुंदर व्हिस्तीद घेतलो. कमलाचो निळो व्हिस्तीद ताका खूप आवडतालो. सारखो तसोच, ताज्याय पेक्षां बरो. वैनीक मनानले कशें कळता कोणाक खबर. मीना खुशाल जालें. दिदी वतलें हें दुख विसरलें. दिदीच्या लग्नान तो व्हिस्तीद कशें घालतलें आनी कशें मिरयतलें हें चिंतपांत गुंग जालें. वैनीक ताजो हेवो दिसलो.

सोयरीं येवपाक लागलीं. वासुबाबाले घर भरून गेलें. दोन तीन वावराड्यो आशिल्ल्यो, मानाय आशिल्लें. पुण मीना शिवाय वैनीचें, दिदीचें कांयच जायनाशिल्लें. दिदीले कितेंय काम करूंक तें बसल्ला इतल्यांत वैनीलो उलो येतालो, 'बाय मीना, थंय वतासर वासुबाबाक भायर कितें तरी मेळनाशिल्लें, आनी परत मीनाक उलो. ताका हांगा थंय नाचून कामां करचीं पडतलीं पुण मीना उबगनाशिल्लें. हांसत-हांसत, फकणा-मस्कऱ्यो करत कामा जाग्यार घालतालें. सोयऱ्यांक मुद्दां ताजी अपुरबाय दिसताली.

देवकाऱ्या दिसा दिर्दीली मुंबयची मावशी आयली. वैनी आनी मावशी खूप तेपान आज मेळिल्लीं. दोगांय एकमेकांची वासपूस करत आसतना वैनीक कितेंतरी विचारपाक मीना थंय आयलें, इतल्यांत मावशेक याद जाली. भायर दारांत तिचें बॅक उरलां. तिणें म्हळें- 'ताई, तुजे मीना म्हणटात तें चेडूं हेंच मगो ? मात्सें तुज्या चेडवाक भायलें बॅक हाडपाक सांग पळोवया—' 'हें ताका चेडूं म्हणूं नाका हां, म्हगेले पोमुक तें-' भायर वतां वतां मीनाच्या कानार ही उतरां पडली. आडवन धरिल्लीं दुकां ताज्यापोल्यार देंवलीं.

मीनान मावशेक पयलेच खेपे पळेल्ली. पुण तिजे उलोवण्यानी तिच्याविशीं ताज्या मनान गांठ पडली. ताणें थारायलें हिजे मुखार चड येंवपच ना. तें कामाक लागलें.

सांजवेळां सगळी खबऱ्यो करूंक बशिल्ली. इतल्यांत वैनीक याद जाली, नथ दाखय म्हणून वोदोळ भयणीन सांगिल्लें आनी कामाच्या बोवाळांत ती विसरलेली. फुलां ताटांत माणपाक मीना थंयच बशिल्लें. तिणें ताका सांगलें- 'बाय ही चावी घे आनी नथ हाड, मावशेक दाखोवयां- 'मीना उठतां-उठतां मावशेली कडकडीत उतरां ताच्या कानार पडलीं- 'ताई, ही कितें विशेषणा. तिजोरेची चावी चेडवाकडेन पातयेता. दी हांगा, हांव घेवन येतां-'

मीना शेळेलें. आजवेर ह्या घरांत ताका कोणुच चेडूं म्हणनाशिल्ले आनी अविश्वासय दाखोव नाशिल्लो. तें दातानी ओंठ घट्ट धरून सकल बसलें. इतल्यांत वैनीन म्हळें- 'आगो, तुमचीं मुंबय व्ही ही वचत ताका दुबावाच्या चाळणीत घालून चाळपाक. चल बाय हाड नथ.'

मीना वैनीच्या तोणाक पळोवन ना म्हणूंक शकलेना. चावी घेवन गळिल्ल्या पावलांनी भितर गेलें.

लग्नाचो म्हुर्त सांजे चारांक आशिल्लो. बेगिन जेवणाचो आवार सोंपोवचो म्हुण बारांक पयली पंगत वाडली. दुसरे खेपे वावराड्यो आनी मानाय हांची पंगत भायर वाडली आनी भितर बुरिल्ल्यांची. मीना भितर बसले. बेगीन जेवन [illegible] दना ताटांत माणून दवरूं जाय आशिल्ली.

सगळीं पानार बसलीं. इतल्यांत को[illegible] म्हुण पळोवंक मावशी भितर आयली. पंगतीवेल्[illegible] ताना तिका मीना दिश्टी पडलें. तें बराबर [illegible] तिका पयलींच कालचो नथीवेळचो राग आशिल्[illegible] भयणय नाशिल्ली. ती गेली ती मीनाक हाता धर[illegible] तारून म्हणक लागली- 'वावराड्यांची पंगत भा[illegible] तू भितर शे ? तूं आपल्याक समजता कोण ? [illegible] माथ्यार बसयला तुका. चल भायर वचून बस.' [illegible] रावली ना. ताका भायल्या वटच्यान धुकलून दि[illegible]

सगळ्यांमुखार केल्लो हो अपमान मीनाच्य[illegible] ताजो पाखो घेवंक वैनीय नाशिल्ली. ताणें धांव[illegible] कुडीत. ताका खोळसा फुटून रडूक येवं लागलें. प[illegible] लागिल्लो. तें हुंदक्या-हुंदक्यानी रडूं लागलें. [illegible] लागली.

ताका जाग आयली तेन्ना भायर वाजप वा[illegible] कितलो वेळ जालो. तेलाची तयारी करूं जाय. —[illegible] वेल्यान उडी मारून सकल देंवलें. इतल्यांत [illegible] आपल्याक भूक लागिल्ल्याची. तें भरशी ताका स[illegible] 'वैनीमुद्धा म्हाका उलोवंक आयली ना, आज म्हा[illegible] रली तर ? ' हे विचारा सरशीं ताका आनीकूय [illegible] ताणें आयणो घोटलो. दुकां गिळ्ळीं. तोणार उदक [illegible] आयलें.

'सगळ्यो कुडी रिकाम्यो, आरेच्या ही सग[illegible] अशें म्हणत तें दिदील्या कुडींत आयलें. दिदी[illegible] भायलो माटोव दिसतालो. 'आं सत्यार दिदी [illegible] गळ्यांत माळो.' मीना अजापलें, ताणें माटवांतल्या[illegible] सगळीं बसून आइस्क्रीम खातालीं- 'म्हणजे, दिदी[illegible] आनी हांव न्हिदून उरलें. म्हाका कोणेंच उ[illegible] पांय कडकडपाक लागलें. ताणें सकल बसकण घेत[illegible] घुस्मटुन रडूं लागलें. ताणें लग्ना वेळार घालूंक द[illegible] पायांकडेन पडिल्लो, तो दुकांनी भिजतालो.

भायर वाजप वाजतालें. आइस्क्रीम वांटपा[illegible] तालो. वासुबाब माटवाच्या दारांत रावन कोणाक[illegible] सांगतालो- 'आरे आइस्क्रीम हांगा हाडात रे. [illegible] पोरां आयल्यांत तांकांय दियात. आज कोणाचेंच [illegible] जायना.

ल

— सौ. नीला तेलंग

?'

ब ?' .

निळोच कुडको दिसता न्हय गे ? थंय म्हाका
ा पांचव्याच जनेलांतल्यानी जळीं–मळीं पातळिल्ले
ळबाचे कुडके म्हाका बरे दिसतात. तांचेर म्हाका
?'

णीच्या चोंचीर मुमुरखो हांसो फांकलो. हय-न्हय सो.
तोच ध्यास लागलो पुता ? तें तुमचे बडीचेंच. पुण
ब. अेक दीस तुका थंयच पावपाचे आसा. अेक मात
तुका जें जाय तें मेळयतलो जाल्यार तितलेंच किदें
पडटा.'

शवण्याक बावडचाक आवयच्या उलवण्यांतले कांयच
ज्या फाटल्यान आशिल्लो हुस्कार मात ताका जुस्त

योडो तेप गेलो.

उडूंक येता मगे ! तरीकय हांव त्या निळ्या
कसो पावना ?'

ळयलें. तो हुडून तेंगशेर गेल्लो. आनी ताजीं बाकीचीं
टेरा म्हऱ्यांतल्याच ताळयानी नाचताली.

येन ताका तोखेवन हांसली.

दिसता, म्हाका केन्नाच थंय वचूंक येवचे ना, हय

ोगी रावल्या आनी वेल्यान भितल्या भितर हांसता
खंत तिडकीतल्यान भायर सल्ली.

ाल्यों पासीयेंस काड रे. शिताफुडें मीठ किल्याक
वाट पळय. तुका जमतलेंच. पुण याद दवर तुका
जुस्त मेजचें पडटलें. आतासाकूनच त्याखातीर मन

ल मेजचें पडटा काय ? एकदां त्या सुवातीर पावत
जाल्यार कितेंय वगडांव येत. ताजेइतलें व्हड आनीक किदें आसतलें? कितली मजा आसतली थंय पावंक ? आनी त्या मजेक काळें फांसपी दुसरें कितेंच आसत अशें म्हाका काय दिसना !' तो येवजीत रावलो.

अेक दीस ताणे फांकां फाफुडलीं आनी तो अळंगे वयल्यावयर हुबूंक लागलो. ताका भोवच मजा दिसली. धनुष्यांतल्यान सुटिल्या बाणासारखें ताका झुंप् करून वचूंक येतालें.

आतां तो इतल्या उंचायेर पाविल्लो की ताका सगळचात उंच झाडाच्यो तेंगश्यो वेगळचो वळखूंक येना आशिल्यो. सगली अेकाच तळावयली जमीन, पांचवीच !

पुण त्या कुकुल्या शेवण्याक ती जमीन खंय दिसताली ? ताका तान लागिल्ली ते निळेच कुडके ताज्या भोंवतणी पातळिल्ले, शेकानशेक ! पळयता तेवटेन निळें. पांचव्या संसारातलो तो भायर सरून आता निळ्या सर्गाच्या वाठारात भोवतालो. ताजे इतल्या दिसांचें निळे सपन आज ताज्याफुडे खऱ्यानीच उबे आशिल्लें.

ताणे खोशयेन आपले आवयक मोठचान उलो मारलो. आनीक तेन्ना ताज्या लक्षात आयले कीं आवय आमतिल्यान सुटिल्या गुळये-भशेन सकयल वता. तो मात्सो घुस्पलो आनी आवय फाटोफाट आपूणय देंवक लागलो.

आतां ती झाडाच्या खांद्यांकडेन पावल्या, थंय बसतली. पुण ना, ती थंय रावली ना. वचत रावली. तांचो घोंटेर आशिल्ली ताळी लागली थंयच ती थारली ना.

सदांच ताजी आवय कायबरी अळंग जमनीर देंवताली. पुण आज ती थप्प करून पडिल्ली पळवन ताका खूबच अजाप जालें.

ताका ती मेल्या म्हणपाचें कळूंक बरोच वेळ लागलो. ताजें जैत बरेंच म्हारग आशिल्लें. ताका फारीक करचें पडिल्लें मोल ताका दिशिल्लें ताज्यापरस खूब चड आशिल्लें.

ह्या व्हडल्या दुखांतल्यान तो भायर सल्लो आनी ताज्या मळ-बाच्या व्हडल्या तानेन परती तकली वयर काडली. दुसऱ्यांदा तो त्या निळपाणेंत भोवंक गेलो. ताजें आंग शिरशिरलें ! वरांची वरां पासयो मारूनय ताजी धादोसकाय मातय वाजेली ना.

(पान ३२ पळयात)

वाचप्यांल. पत्रां

संपादक, कुळागर,

जून ८५ अंकांतलें पांडुरंग भांगी, सुरेश बोरकार हांचें साहित्य मानवलें. तेफळूलीं तेफळांय घोस्ताक गेलीं. सैल, जोग, शिगबाळ हाचींय नांवां अंकांत पळोवन बरें दिसलें. शिगबाळाचो कॅसेटीवेलो 'भावोजी' आयकल्लो. आतां मुद्रसाचो वाचूंक मेळ्ळो. संपादकीय वाचताना मात् कांचवेलों... कुळागरूय आतां वादांत बी शिरकना मूं ?

– वामन नायक
दादर, मुंबय २८

संपादक, कुळागर,

कुळागरांत अदीमदी मुलाखती येतात ही बरी गजाल. पुण मुलाखती शापताना फोटो कित्याक दितात ? बयाभावाची मुलाखत–फोटो ना. भांगीची मुलाखत–फोटो ना आनी आतां शंकर रामाणी. कांय लोक मुलाखती दिवपाक अेका पांयार तयार आसतात पुण फोटो दिनात अशें आयकला. हेच लोक खंय कुस्कुट बक्षीस बी मेळ्ळचार आपणालो तरणेपणांतलो फोटो दिवपाक तयार देखीक : भांगीबाबांक हालींच गोंयच्या क्रिडा आनी सांस्कृतीक खात्याकडल्यान अेक कसलेंतरी बक्षीस मेळ्ळां. हे बातमेवांगडा (गोंयच्या पेपरांनी) फोटो (तांच्या जुवानपणांतलो) आशिल्लो. हीं फटींगपणां कित्याक ? तुमकां म्हजी अेक नमळायेची कळोवणी : ह्याफुडें तुमीं फोटोबगर कोणाची मुलाखत शापची न्हय; तो मागीर केदोय मोटो (खऱ्यांनीच, वा स्वताक तसो समजुपी) आसूं.

– शंकर नायक
सांतिनेज, पणजी

संपादक, कुळागर

जून ८५ च्या अंकांतलो मुद्रसालो 'भाओजी
तेचपरी गजानन जोगालें 'वक्ल फुटलें' हें बरप.
कथा म्हणचें काय अेकांकी म्हणचें ? काय नाट्य
समिक्षकान 'ही कथा न्हय; अेक नाटयछटा' म्हुण
चर्चेतल्यान कडेक अुडयल्ली अशें आयकलो. तुमचें
शिगबाळाचो 'गुलाल' मन रंगोवन गेलो. तुमकां शुभेच्छ

– म
भाय

संपादक, कुळागर,

जूनाच्या अंकांतलीं तेफळां मानवलीं. हें नवें सदर
जाल्यार तें चालू दवल्ल्यार वायटशें न्हय. जुलयच
'सुरंगां नारंगां'य बरीं लागलीं. 'सुचना' आनी '
ध्वन्यार्थ बरो आसलो. हालीं हालीं 'कुळागरा'तूय
दिसूंक लागल्यांत. तेफळ आनी फोगेर ही अेकूच व्यक्ति
बरें मागून,

–सती
दाभ

संपादक, कुळागर,

जुलयच्या अंकांतलो श्रीपादबाब देसाय हांचो
गजालीं' वेल्यान हो लेख आवडलो. ह्या अंकांत (
येवपी) अनाच्यो 'गजालीं' नात पुण श्रीपादबाब
अुणीव भरून काडिल्लेवरी दिसलें. म्हाका खूब फा
श्रीपादबाबांच्या दीर्घ अणभवाचो अभ्यासाचो कोंकणीच्या
अजून सारको लाव आनी थाव घेवंक ना. गोंयकारांचे
पुण श्रीपादबाबांचो आशावाद आनी अुमेद पळोवन म्ह
तरणाटयाक अजाप दिसता.

–

मोल

(पान ३१ वेल्यान)

पुण सूर्याच्या भांगरा किर्णांनी शिटकावणी
शाबुद्दीर आयलो. तिळसांज जाल्ली. तो हळूच झोंपय
आयलो आनी आपल्या घोंटेराच्या देगेर तेंकलो.

'भितर सरूं नाका.'

'हांगा कित्याक आयला आतां ?'

'लाग चलूंक.'

एका फाटल्यान एक ताजीं भावणां आडुत
म्हळचार किदें तें ताका आजमेरेन खबर नाशिल्लें. त
नीच तो दाखयिल्यान ताका आनीक वायट दिसलें.

आपसूक ताज्या तोणांतल्यान उतरां भायर सल्ल
'तुका ताजे मोल जुस्ताजुस्त मेजचें पडटलें.'